# शिवोलेच्या जागरांतलो सामाजीक एकचार: धर्म आनी लोकसंस्कृतायेच्या संदर्भांत

## (Shivolecha Jagrantlo Samajik Ekchar: Dharm Ani Loksanskrutayecha Sandarbhat)

एम.ए पदवी पुरांय करपा खातीर सादर केल्लो प्रबंध

Kon-650


**सोदवावर करपी :कु. नताशा दिनेश तोरस्कार**

22P0180034

ABC ID - 765035534929

PRN- 201809211

**मार्गदर्शक: डॉ. प्रकाश पर्येकार**

**सहयोगी प्राध्यापक**

कोंकणी अध्ययन शाखा शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य माहाशाळा

गोंय विद्यापीठ


एप्रिल 2024

Seal of the School

Examined by

# DECLARATION BY STUDENT

I hereby declare that the data presented in this Dissertation report entitled, "Shivolcha Jagrantlo Samajik Ekchar: Dharm ani Loksanskrutayecha Sandarbhat" in the konkani at the Shenoi Goembab School of Languages & Literature (SGSLL) Goa University under the Supervision of Dr. Prakash Parienkar and the same has not been submitted elsewhere for the award or a degree by me. Further, I understand that Goa University or its authorities will be not be responsible for the correctness of observations or other findings given the dissertation.

I hereby authorize the University authorities to upload this dissertation dissertation repository or anywhere else as the UGC regulations demand and make it available to any one as needed.

Toraskar
Natasha Dinesh Toraskar
Signature and Name of Student
Seat no: 22P0180034

Date: 16/04/2024

Place: Goa University/ College name

**COMPLETION CERTIFICATE**

This is to certify that the dissertation report "Shivolecha Jagrantlo Samajik Ekchar: Dharm ani Loksanskrutayecha Sandarbhat" is a bonafide work Carried out by Miss Natasha Dinesh Toraskar under my supervision in partial Fulfilment of the requirements for the award of the degree of konkani in the Discipline Shenoi Goembab School of Languages & Literature (SGSLL) at the Goa University

Signature and Name of Supervising Teacher (Dr Prakash S. Parienkar)

Date:

Signature of Dean of the School

GOA UNIVERSITY SHENOI GOEMBAB SCHOOL OF LANGUAGES & LITERATURE TALEIGAON PLATEAU

School/Dept Stamp Date:

Place: Goa University

## मनोगत

"शिवोलेच्या जागरांतलो समाजीक एकचार: धर्म आनी लोकसंस्कृतायेच्या संदर्भात" ही प्रबंधिका तुमचे मुखार सादर करतना म्हाका मना काळजा सावन खोस भोगता. हो सोदवावर करतना म्हाका जायत्यो गजाली शिकपाक मेळ्ळयो. तशेंच म्हज्या गिन्यानात नव्या ज्ञानाची भर पडली. जायत्या जाणकारांची मतां आयकून घेवपाची संद म्हाका मेळ्ळी. कांय बरें तशेंच वायट अणभव म्हज्या वाट्याक आयले. ही प्रबंधिका करतना फक्त शिवोलेच्या जागराचेर उजवाड पडलो ना, तर शिवोले गांवचेर लेगीत उजवाड पडलो.

हे प्रबंधिके निमतान म्हाका खूप कितें नवें शिकपाक मेळिल्ल्यान सगळ्यांत पयलीं अध्ययन शाखेचें संचालक डॉ. हनुमंत चोपडेकर , म्हजे मार्गदर्शक डॉ प्रकाश पर्येंकार हांचें भोव मोलाचें मार्गदर्शन म्हाका लाभलें. तेंचे प्रमाण संशोधनाकडेन पळोवपेची तांची नदर म्हाका म्हज्या पुराय प्रबंधिकेक उपयोगाची थारली. तांच्यानी म्हाका लागून घेतिल्ल्या ह्या त्रासांक हांव सदैव तांच्या उपकारांत उरतलें.

ज्या पुस्तकांची म्हाका गरज पडलो तीं गोंय विद्यापीठाच्या ग्रंथालयांत, कृष्णदास शामा ग्रंथालयांत आनी गोवा कोंकणी अकादेमीच्या ग्रंथालयांत मेळील्ल्यान हांव तांचे उपकारी आसा. ही प्रबंधिका पुराय करपाक म्हाका म्हजी आवय वापुय आनी घरच्यांचोय साथ मेळील्ल्यान तांचेंय हांव मना काळजा सावन उपकार मानता. शिवोलेच्या जागराचेर म्हज्या प्रश्नांक सदांच हयकार दीत म्हका ह्या विशयाचेर खोलायेन म्हायती दिवपी कन्हैया शिरोडकार, शांबा शिरोडकार, कविश्वर शिरोडकार, डॉ. विनय मडगांवकर, नारायण तोरस्कार, विठू तोरस्कार हांचेय हांव उपकारीं आसां. तशेंच गांवच्या हेर लोकांनी मदत केल्ल्यान तांचेय उपकार मानप म्हजें कर्तव थारता. ज्या वेळार म्हाका मदत जाय पडला तेवेळार म्हजी इश्ट इश्टिणीं म्हाका दिल्लो तेंको, ताचे खातीर तांचेय उपकार मानता.

**प्रस्तावना :**

गोंय हो मध्य कोंकणांतलो एक मुखेल प्रदेश. ह्या प्रदेशांत कदीम काळा पासून विवीध लोकसंस्कृतायांक पोसवण दिल्ल्याचे पुरावे आसात. शिलाहार, चोल, चालुक्य, कदम, राजा, विजयनगरचो राजा, बिजापूरचो अदिलशाह आनी पोर्तुगेज ह्या राजवटींत राजकीय, धार्मीक, संस्कृतीक आनी सामाजीक परिवर्त जाल्लें आसा. ह्या राजवटींक लागून हांगां साबार धर्माचे लोक आयले. तांच्यानी आपली भास आनी लोकसंस्कृताय वसयली. मन आनी मन परिवर्तन जालें. ह्या सगळ्यांच्यो कुरवो हांगासरले लोकभाशेंत, लोकसंस्कृतायेंत, इतिहासांत, भेस, खाणा- जेवणां, स्थापत्यकला आनी हेर कांय गजालीनी ठळकपणान दिश्टी पडटा.

वेगवेगळ्या राजवटींत आपल्या धर्माचो प्रचार आनी प्रसार केला. ताची देख म्हण विवीध देवळां, इगर्जो, मश्जीद, होवऱ्यों आनी जैन मंदीरांचे अस्तित्व हांगां पळोवंपाक मेळटात. ह्या सगळ्यांचो विचार करतकच आमकां गोंयच्या अस्मितायेचें स्वरूप लक्षांत येता.

हे थळावे लोकसंस्कृतायेचो नियाळ घेता तेन्ना ह्या गोंयांत कालो, रणमालें, खेळ, जागर सारकीं लोकनाट्यां; धालो, फुगडी, तालगडी. चप्पय, तोंडयां

मेळ, गोफ, मांडो, सारके लोकनाच; लग्नगितां आनी वेर्स, होवयो, जत, आल्लय सारकीं लोकगितां; ताचे भायर परबो, उत्सव आनी विवीध परंपार ताची गवाय दिता.

रणमालें, खेळ आनी  जागर हीं गोंयचीं मुखेल लोकनाट्यां हांगा आसात. ह्या लोकनाट्यां वरवीं गोंयच्या लोकसंस्कृतायेची खाशेली वळख आमच्या मुखार उबी रावता. ह्या विधीनाट्यांची संकल्पना, स्वरुप, तातुंतलीं पात्रां, वाद्यां, संगीत, नृत्य, भेस, रंगवण,  सादरीकरणाची पद्दत तशेंच वेगवेगळ्या भागांत आशिल्लें वेगळेंपण अभ्यास करतकच तांच्यो विशेशतायो लक्षांत येता.

बार्देश तालुक्यांतल्या शिवोले ह्या गांवांत हिंदू आनी क्रिस्तांव समाज एकीकडेन येवन जागर सादर करतात. हो जागर गोंयांत "शिवोलेचो जागर" म्हण फामाद आसा.

शिवोलेचो जागर डिसेंबर म्हयन्याच्या निमण्यो सोमार दीस जाता. शिवोले गांवची ग्रामदेवी सांतेरी हिची जात्रा त्या सोमार दीस आयली जाल्यार जागर मंगळार दीस जाता. ग्रामदेवी ह्या नात्यान पयलो मान आशिल्ल्यान गांवचे लोक असो निर्णय घेतात. हिंदू आनी क्रिस्तांव समाज एकठांय येवन हो जागर व्हडा उमेदीन सादर करतात. अशे दोनूय समाज एकठांय उत्सव

मोनवपाची तरा खेरीत आसून धर्मीक, समाजीक आनी लोकसंस्कृतीक एकचाराचें प्रतीक मानतात. ह्या एकचारा फाटली भावना तिच्या फाटल्यान आशिल्लीं कारणां समजून घेवचे खातीर हें म्हजें संशोधन म्हत्वाचें थारतलें. अशी म्हजी धारणां आसा.

**मांडावळ**

**प्रकरण : 01 ----------------------------------1-7**

1. प्रस्तावना

1.1 आवाठ आनी मर्याद

1.2 संशोधन विशयाची समस्या

1.3 संशोधन कार्याची उपयुक्तता

1.4 संशोधन कार्या फाटलीं उद्दिश्टां

1.5 संशोधन पद्दती

**प्रकरण : 02 ------------------------------------------8-23**

2. **शिवोले गांवचो इतिहास, समाजीक, संस्कृतीक आनी धर्मीक एकचार**

2.1 शिवोले गांवची उत्पत्ती, भुगोलीक शिमो.

2.2 शिवोले गांवचो संक्षिप्त धर्मीक, समाजीक आनी लोकसंस्कृतीक फांटभूंय.

2.3 शिवोले गावांचो पारंपारीक आनी आधुनीक वेवसाय.

2.4 शिवोले गांवच्यो परबो आनी उत्सव.

**प्रकरण : 03------------------------------------------24-59**

3. **शिवोले गांवचो जागर: एक संक्षिप्त नियाळ**

3.1 जागराची इतिहासीक फाटभूंय.

3.2 जागराचे मानकारी.

3.3 जागराची पूर्व तयारी.

3.3.1 फोवांचे परबेंतल्यान दिसपी गांवचो एकचार.

3.3.2 जागराची येसाय.

3.4 जागराची स्वारी.

3.5 जागराचें स्वरूप आनी सादरीकरण.

3.5.1 जागराच्या पात्रांतल्यान दिसून येवपी एकवटाची भावना.

3.5.2 वाद्यां.

3.5.3 ओंवयो.

3.6 जागराचें वेगळेंपण.

**प्रकरण: 04 ------------------------------------------60-76**

**4. शिवोलेच्या जागरांत दिसपी धर्मीक एकचार**

4.1 हिंदू आनी क्रिस्तांव समाजाचो एकवठ.

4.1.1 फोवांचे परबेंत दिसपी समाजीक एकचार.

4.1.2 जागराचे तयारेंत दिसपी एकचार.

4.1.3 जागराच्या पात्रांनी दिसपी एकचार.

4.1.4 जागराची स्वारी परत येतना दिसपी एकचार.

4.1.5 हिंदू क्रिस्तावांच्या विचारांत दिसपी समाजीक एकचार.

4.2 गांवच्या कोपेलांक दिल्लो मान.

.3 ओवयांनी धर्मीक एकचारा संदर्भात जाल्लो उल्लेख.

4.4 जागराचें आदिस्थान आनी तांचें म्हत्व.

4.5. जागर सादरीकरणांतल्यान दिसपी धर्मीक एकचार.

**प्रकरण : 05 ------------------------------------ 77-87**

**5. जागरांले लोकसंस्कृतायेतल्यान दिसपी एकचार**

5.1 जागराची परंपरा.

5.2 जागराच्या आदीस्थानार जावपी येसाय.

5.3 स्वारी, कोपेलाकडलें थळ.

5.5 जागराच्या दिसा केल्लीं खाणां जेवणां.

**प्रकरण : 06 ----------------------------------88-98**

6.1 समारोप.

6.2 निश्कर्श.

**आधारावळ ----------------------------------99-101**

**परिशिश्ट-01---------------------------------- 102**

**परिशिश्ट-02---------------------------------- 102**

**परिशिश्ट-03---------------------------------- 103-116**

**परिशिश्ट-04 ---------------------------------- 117-124**

# प्रकरणः पयलें

# प्रकरण : 01

## 1 प्रस्तावना.

भारत ह्या राज्यांत गोंय हे एक ल्हानशें राज्य आसा. ह्या राज्यांत एक केलीची सया आमच्या नदरेक पडटा. जागर, कालो, खेळ, रणमाले ही कांय गोंयचीं लोकनाट्यां जी गोंयच्या लोक कलेक पोसवण दिता. गोंयच्या लोकनाट्याक हजार वर्साचो इतिहास आमकां पळोवपाक मेळटा. तातूंतलेच एक म्हळ्यार गोंयचो जागर.
गोंयांत खूप गांवानी आदीम काळासावन लोक जागर मनयतात. जागराचे जायतें प्रकार आमकां पळोवपाक मेळटा. देखीक: पेरणी जागर, गावडा जागर, हिंदू- क्रिस्तांवांचो जागर. ह्या लोक नाट्यांक विधी नाट्य अशेंय म्हणटात कारण, तांका एक थरावीक वेळ आनी थळ आसता. तशेंच पात्रां थरावीक आसता.

गोंयच्या बार्देस म्हालांत शापोरा न्हंयचे देगेर गच्च माडांनी भरिल्ल्या शिवोले ह्या गांवान दांडा वाड्यार हिंदू- क्रिस्तांवांचो जागर जाता. गांवचे हिंदू आनी क्रिस्तांव एकठांय येवन व्हडा खोशयेन वर्सान वर्स हो जागर मनयत आयल्यात.

ह्या नाट्याच्यो सकयले प्रमाण कांय विशेशतायो आसात :

1 शिवोले गांवच्या दोन धर्माचें लोक एकी कडेन येवन हो लोकनाट्य प्रकार सादर करतात.

2. हें लोकनाट्य गोंय आनी गोंया भायर फामाद आसा.

3. हो जागर डिसेंबर म्हयन्याच्या निमण्यो सोमार दीस जाता.

4. जागर सादर केले उपरांत तियात्राचो खेळ जाता.

5. आयज मेरेन जागर सादर करपांत खंड पड्ंक ना.

6. ह्या जागराक शेकड्यानी वर्सांचो इतिहास आसा.

7. सामाजीक एकचार ह्या जागराचो मुखेल घटक.

## 1.1 आवाठ आनी मर्याद.

प्रकाशीत जाल्लें साहित्य वाचले उपरांत कोंकणी भाशेंत शिवोलेच्या जागराचेर आजून मेरेन खोलायेन अभ्यास केल्लो दिश्टी पडना. “**शिवोलेच्या जागरांतलो सामाजीक एकचार: धर्म, समाज आनी लोकसंस्कृतायेच्या संदर्भांत”** हो म्हजो संशोधनाचो विशय आशिल्ल्यान ह्या विशयाचेर अभ्यास जाल्ल्याची नोंद मेळना.

शिवोलेचो  जागर दोन क्रिस्तांव आनी हिंदू समादाक लागून गोंय आनी गोंयांभायर फामाद आसा. गोंय, गोंयां भायले तशेंच भारता भायले भावीक आनी अभ्यासक हें लोकनाट्य पळोवपाक येतात.

ह्या गांवात दांडा वाड्यार आनी गुडें ह्या वाड्यार जागोर जाता. ह्या दोनूय जागरान वयर उल्लेख केल्ले समाज भाग घेतात.  दांडा वाड्यार जावपी हो मूळ जागर अशी लोकमानसांत भावना आसा. ताका लागून म्हजो हो सोद वावर दांडा वाड्यार जावपी जागराचेर आदारीत आसतलो

## 1.2 संशोधन  विशयाची  समस्या.

गोंयांत साबार कडेन दोन धर्म एकठांय येवन विधी वा उत्सव सादर करपाच्यो देखी आसात. धर्म आनी संस्कृताय ह्यो दोन वेगवेगळ्यो संकल्पना आसून एकाच संस्कृतायेचीं आंगां दोन वेगवेगळ्या धार्मांत आमकां पळोंवक मेळटात. हे गजालीक लागून धर्मीक उत्सवांच्या वेळार दोन धर्मातले लोक एकठांय येवन एकामेका भितर मिसळून कार्य करताना दिश्टी पडटा.

धर्मीक, समाजीक आनी लोकसंस्कृतीक एकचाराचीं प्रतीकां हें मानवतायेच्या नदरेन म्हत्वाचीं  मानतात. शिवोलेचो जागर ही ताची

एक उत्तम देख. सकयल दिल्ल्या संशोधन विशयाचे समस्यांचेर आदारून हो म्हजो सोदवावर आसतलो.

- शिवोलें गावांचो इतिहास, धर्मिक, समाजीक आनी राजकीय स्थिती.
- जागर लोकनाट्याची परंपरा, स्वरूप आनी खाशेलेंपणां.
- शिवोले जागरा संदर्भांतलो धर्मीक आनी लोकसंस्कृतीक एकवट.
- हेर जागरां पासून शिवोलेच्या जागराचें वेगळेंपण.
- क्रिस्तांवाचीं स आनी एक हिंदू घराण्यांक आशिल्लो मान.
- जागरांतल्या ओवयांचें महत्व आनी तातूंत वर्णीत केल्ली एकचाराची भावना.
- हिंदू आनी क्रिस्तांव समाजातल्या लोकानी काडिल्ली जागरा दिसा काडिल्ली जागराची स्वारी आनी तिचें स्वरूप.
- जागराची पूर्व तयारी.
- जागर सादरीकरण आनी ताचें धर्मीक आनी संस्कृतीक महत्व.

## 1.3 संशोधन कार्याची उपयुक्तता.

भारत देशांतलें गोंय राज्य हें धर्मीक आनी संस्कृतीक एकचाराचें एक महत्वाचें केंद्र. हांगां धर्मीक एकचाराच्यो साबार देखी आसात. एक परब वा उत्सव एकठांय येवन मनोवपाची पद्दत आसा. धर्मांतरण जाल्ले

लोक आपल्या मूळ लोकसंस्कृतायेक मानतात आनी आपल्या कूळ देवाक भजतात.

धर्मीक, समाजीक आनी लोकसंस्कृतीक एकचाराचे नदरेन शिवोलेचो जागर हें म्हत्वाचें लोकनाट्य. लोकनाट्याची विधी, हिंदू आनी क्रिस्तांव घराण्यांत आशिल्ली परंपरा, येसाय मारपाची पद्दत, आदीस्थाना कडल्यान मांडार वयता ती स्वारी, जागर सादरीकरण आनी ताचे उपरांत सादर जावपी तियात्र ह्या सगळ्या गजालीं फाटल्यान आशिल्ल्या तथ्यांचो सोद घेवप जातलो.

## 1.4 संशोधन कार्या फाटलीं उद्दिश्टां.

1. शिवोलेच्या जागराचो संक्षिप्त इतिहास सोदप जालो.
2. शिवोलेच्या जागराची परंपरा खोलायेन अभ्यासप जातली.
3. गोंयांत हेर कडेन सादर जवपी जागर आनी शिवोलेच्या जागरा भितर आशिल्लें वेगळेंपण सोदप जातलें.
4. शिवोलें गांवचो जागरांत आशिल्लें धार्मिक एकचाराचें स्वरुप सोदप जातलें.
5. शिवोलेचो जागर सादर करपाक मुखेल भुमिका आशिल्लीं क्रिस्तांव आनी हिंदू घराण्यांक आशिल्लो मान सोदप जातलो.

6. जंय शिवोलेचो जागर जाता दांडा ह्या थळाचें खाशेलेंपण सोदप जातलें.
7. शिवोलें गांवांत  दोन जागर जातात ताचे फाटली कारणां सोदप जातलीं.

## 1.5 संशोधन पद्दती.

1. समाजशास्त्रीय पद्दत.
2. मुलाखत पद्दत.
3. संस्कृतीक अभ्यास पद्दत.

# प्रकरण- दुसरें

## 2. शिवोलें गांवचो इतिहास, समाजीक, संस्कृतीक आनी धर्मीक एकचार.

शिवोले गांव लोक कलेन भरील्लो असो सुंदर गांव आसा. हांगाचें लोक मोगाळ आनी कश्टाळू , नाच गाण्याचें शौकीन. आपणाल्या घराण्याचो तांका भोव अभिमान.

### 2.1. शिवोले गांवची उत्पत्ती , भुगोलीक शिमो.

भारत देशांतलें गोंय हें पश्चीमी दिशेक आशिल्लें एक ल्हान राज्य. ह्या राज्यांत बारां तालुके आसात. बारदेस तालुक्यांत, शापोरा न्हंयच्या देगेर माडांनी नटिल्लो सैमिक गिरेस्तकायेन भरिल्लो शिवोले हो सोबीत सुंदर गांव. शापोरा न्हंये वांगडाच ल्हान दोंगर दोंगुल्ल्योय हांगां पळोवंपाक मेळटात.

'शिवोली' गांवाक शिवोली नांव पडपा फाटल्यान कांय कारणां आसात. तीं म्हळ्यार पयलींच्या तेंपार ह्या गांवचें नांव "शींव" आसलें आनी देखून ह्या वाठाराक शींव + हळ्ळी म्हूण सगळे वळखताले. हळ्ळी म्हळ्यार कन्नड भाशेंत गांव. XINV- HAL'LI आनी मागीर XIVOLI उपरांत पुर्तुगेजांनी ते SIOLIM अशें केलें."[1]

शिवोली ह्या गांवांक पयलीं 'शिवलींगा' ह्या नांवांन वळखताले. ह्या नांवां फाटल्यान एक आख्यायिका आसा ती म्हळ्यार "पुर्विल्ल्या काळांत शिवोले गांवांत शंकराचे देवूळ आशिल्लें. पुर्तुगेजांनी हें देवूळ मोडलें आनी देवळांतली मुर्ती आनी लीगं बांयत उडयलें. ह्या देवळाच्या जाग्यार सेंट अँथनीची इगर्ज बांदली. पूण ही इगर्ज उबारतना शंकराच्या गळ्यांतलो नाग ह्या इगर्जेचें काम पुराय जावंकच दिनाशिल्लो. तो परत परत ती इगर्ज मोडपाक लागलो. अश्या वेळार सेंट अँथनीन ताका उतर दिलें की, हे इगर्जेंत तुजेंय उंचलें स्थान आसतलें. तेन्ना ही इगर्ज बांदून पुराय जाली. ह्या कारणाक लागून ह्या नागाचें चित्र आमकां आयज लेगीत इगर्जेच्या माथ्यार आशिल्ल्या सेंट अँथनीच्या उजव्या हातांत दोरयेन बांदून धरिल्लो दिश्टी पडटा."[2] (परिशिश्ट 4 पळोवचें)

म्हापसा ह्या शारांतल्यान शिवोले ह्या गांवांत येवपाक मुखेलपणान आमकां दोन वाटो मेळटात. एक मार्ना हे वाटेन आनी दुसरी सोडयें हे वाटेन. शिवोले गांवांत आमकां तीन वाडे आस्पावतात. ते म्हळ्यार मर्ना, ओशेल आनी सोडयें. ह्या तिनूय वाड्यांक स्वताचो वेगळ्यो पंचायती आसात. ह्या वाडयांनी कांय उप वाडे आसात. ते म्हळ्यार दांडो, गुडें, तार, ओशेल, मधलेभाट, वाडी, बामण वाडो, मायणा, घुबलावाडो, फर्नांडिस वाडो, बायळोली, नवेंभाट, पर्ता वाडो, राय, शेळ आदी.

2023 वर्सा शिवोलें गांवची जनगणनेच्या प्रमाण लोकसंख्या सुमार 15,000 आशिल्ली. शिवोले गांवचे   जाती घटक अनुसुचीत जाती (एससी) 0.84 % जाल्यार अनुसुची जमात (एसटी) 0.23 % आशिल्ली. शिवोले कामाची म्हायती वट्ट लोकसंख्येंतल्यान 4,019 लोक काम वा वेवसायीक वावरांत आसात. हातूंतले 2,792 दादले जाल्यार 1,227 बायलो. धर्म प्रमाण टक्केवारी: हिंदू 65.84%   मुसलमान 3.20% क्रिस्तांव 30.47%. शीख 0.02% . बौध्द 0.08% . जैन 0.00% . हेर 0.03% . धर्म नाशिल्ले 0.37% . आस्पावतात."[3]

## 2.2 शिवोले गांवचो संक्षिप्त धर्मीक, समाजीक आनी लोकसंस्कृतीक फांटभूंय.

शिवोले हो गांव फक्त सैमीक गिरेस्तकायेन भरूंक आशिल्ल्यान ताका धर्मीक, समाजीक आनी संस्कृतीक गिरेस्तकायेचें वरदान मेळ्ळां. सगळे लोक एकठांय रावतात आनी ह्या कारणाक लागून शिवोले हो पुराय गांव एक घराबो कसो पळोवंपाक दिसता. शिवोले गावांत हिंदू, क्रिस्तांव, शीख, बौद्ध ह्या धर्माचे लोक आमकां आस्पावतात अशें जाणकाराचें मत आसा.[4]

गांवांत वेग वेगळ्यां वाड्यांचेर वेग वेगळ्या देव देवींचीं देवळां आसात. देखीक: सांतेरी, दाडोबा, काळोबा, साखळेश्वर, खाजनेश्वर, माताराजेश्वर, आजोबा, दत्त मंदीर आदी. तशेंच वेग वेगळीं कोपेला आनी इर्गजो आसात. देखीक: सेंट ॲन्थोनीची चर्च, सेंट जॉनचे कोपेल आदी.

गांवचें एक पोरणें अशें कॅपेल म्हळ्यार माय दे देऊस कोपेल आनी खुरीस. हे कोपेल 1847 वर्सा बांदलें. सुमार 1971 हे कोपेलाची त्या गांवच्या लोकांनी चर्च केली आनी ह्या चर्चीची स्वताची सिमिती आसा. हीं इर्गज आतां आमकां सडयांत गांवसा वाड्यार पळोवंपाक मेळटा.[5]

दुसरी चर्च मेळटा ती म्हळ्यार 'द ट्रोपा चर्च'. ही इर्गज ट्रोपा वाडो सोडयें हांगा उपस्थित आसा. 'नोसा दे कोनसोलासा दोस परसेगायदो' हाची ही इर्गज. 1762 वर्सा ह्या इर्गजेक बांदपाक सुरवात केली. ह्या इर्गजेचें वर्साचे फेस्त मे म्हयन्यांत येवपी दुसऱ्या आयतरा मनयतात.[6]

तशेंच मार्ना वाटेन आमकां 'सेट सेबेस्टीयन' हांचें कोपेल मेळटा. प्रभू घराण्यांतलो नव क्रिस्तांव फेबियन डिसोझा हांणी आपली स्वताची अशी सुवात ह्या कोपेलाक दिली. हें कोपेल 1871 वर्सा बांदलें . तशेंच कोपेलाच्या मुखार अनाथ भुरग्यांक खातीर 'Children's Happy Home' नांवाचें अनाथ आश्रम बांदला. ह्या कोपेलाचें फेस्त जानेर 20 उपरांत येवपी आयतारां दर वर्साक मनयतात.[7]

मुखार वचत जाल्यार पोत्ता वाडो हांगा आशिल्लें 'आवर लेडी ऑफ सोरोव' हें कोपेल मेळटा. हें कोपेल मोडून परत 23 मे 1943 वर्सा नव्यान बांदलां. ह्या कोपेलाचें फेस्त मे च्या दुसऱ्या आयतरा मनयतात.

तशेंच आमकां शिवोले गांवांत फर्नांडिस वाड्यार 'आवर लेडी ऑफ डोलोस' हे कोपेल आस्पावता. ह्या कोपेलाची स्थापना 1816 जाल्ली मेळटा. मे म्हयन्यांत येवपी तिसऱ्या आयतरा हाचें फेस्त मनयतात.[8]

'आवर लेडी ऑफ इमेकुलेट कोंसेप्शन' हें कोपेल आमकां गुडें शिवोली हांगा मेळटा. 1847 ह्या वर्सा हे कोपेल मोडून नव्यान बांदला. कोपेलाचें फेस्त डिसेंबराच्या 8 तारखेक मनयतात.

मुखार होली क्रोस हें कोपेल बामणवाडो हांगा आसा. ह्या कोपेलांत 28 जुलै 1978 वर्सा वेलेंकान्नी सायबिणीचीं मुर्ती स्थापीत केली. ह्या कोपेलांत लोक नोवेनांक येतात.

सेंट ॲन्थोनीची इर्गज आमकां शिवोले गांवांत खूप फामाद आसा. ही इर्गज पोर्तुगेजांनी 1600 वर्सा बांदली. मागीर ती 15 नोव्हेंबर 1902 ह्या दिसा नव्यान स्थापीत केली आनी एप्रिल 1906 वर्सा ह्या इर्गजेचें काम पुराय जालें.[9]

तशेंच आमकां शिवोले गांवांत गांवचें ग्रामदेवीचे देऊळ सोडयें हांगा मेळटा. ह्या देवळाचीं जात्रा जाता. तशेंच तिथी प्रमाण वाढदिवस जाता. शिवोलेची सांतेरी ग्रामदेवी आसल्या कारणान गांवा गांवांत देवीची पालखी भोंवता.

गुडें ह्या वाड्यार आमकां श्री देव काळोबाचो मंडप मेळटा.  देव काळोबा हाका देंवचार पुरूश अशें मानतात. ताचें पांच भाव आसात ते म्हळ्यार देव आजोबा, दाडोबा, भिंगेश्वर, खाजनेश्वर आनी साखळेश्वर. हांका गांवांत भोव म्हत्व आसा. ह्या देवळाच्या मुखार पाडव्या दिसा होमखंड जाता. तें होमखंड 1954 ह्या वर्सा जिवनमूक्त महाराज  हांणी सुरू केल्लें. ह्या देवळांत जायतें उत्सव जातात देखीक साईबाबा पुजन, धालो, नवरात्री, विठोबा पुजन आदी.[10]

मुखार आमकां शेळ ह्या वाड्यार श्री देव आजोबा हाचें देऊळ मेळटा. ह्या देवळांत दर बेरेस्तारा सांजेचो वार वाजयता. तशेंच भजन-आरती करून लोकांक शिरो आनी पंचाखाज वाट्टात. पौश म्हयन्यांत ह्या देवळांत सत्यनारायणाची पूजा जाता आनी उपरांत पांच दीस नाटकां जातात.

मधलेभाट हांगा श्री राट्रोळी आजोबा देवस्थान आस्पावता. ह्या देवळांत दर सोमरा भजन आनी आरती जातात. तशेंच एप्रिल म्हयन्यान संकष्टीच्या दिसा ह्या देवाचो वाढदिवस करता आनी दनपारां लोकांक

महाप्रसाद आसता. रातच्या वेळार नाटक सादर जाता. शिगम्याच्या दिसांनी हांगा 7 दीस रोमटामेळ आसता. लोक गांवांत शबयक भोंवतात.[11]

चौकी ओशेल शिवोली हांगा श्री देवी भवानी देवस्थान आसा. ह्या देवळांत दिपोत्सव,नवरात्री, गोंधळ तशेंच मंगळार हो देवीचो दीस म्हूण मनयतात. ह्या वेळार हांगा कांय धार्मीक कृती जात आनी संस्कृतीक कार्यक्रम दवरतात. तशेंच ह्या देवळाचें एक खाशेंलपण म्हळ्यार हांगा भवानी हो उत्सव मोठ्या उमेदीन मनयतात. ह्या उत्सवाची सुरवात मंगळारा जाता आनी बुधवारा सोपता. अशें णव दीस हांगा रातच्या बारा वरां उपरांत गोंधळ नाचतात. निमण्यां दिसा गोंधळ जाल्या उपरांत देवीचो कौल जाताआनी प्रसाद म्हूण मोरीचें मटण दितात. ह्या देवीची जात्रा लेगीत जाता.

मात्शे मुखार वचत जाल्यार श्री देव क्षेत्रपाल हाचें देऊळ मेळटा. शेतीची राखण करपी हो देव. ह्या देवळांत देवाचो वाडदिवस दर वर्सा व्हडा उमेदीन मनयतात. तशेंच जात्रा लेगीत जाता.

शिवोले पुला सकयल श्री स्वामी समर्थ महाराज हांचो मठ आसा. ह्या मठाची स्थापना 9 नोव्हेंबर 2008 ह्या वर्सा जाली. तशेंच आता दर वर्सा 9 नोव्हेंबर ह्या दिसा स्वामी समर्थाचो वाडदिवस करतात. दर ब्रेस्तारा सकाळीं धार्मीक विधी जाता, दनपारां लोकांक जेवण आसता

आनी रातचें स्वामी समर्थाची पालखी मठां भोवतणी भोवता. उपरांत आरती आनी परत जेवण जाता.

तशेंच कसल्याय सणां वेळार लोक देवळांत वतात, चर्चींत वतात आनी आपलो धर्म सांभाळून दवरतात. गांवच्या लोकांचो एकचार आमकां शिवोले गांवांत पळोवंपाक मेळटा. शिवोलेच्या लोकांक भायलें लोक मोगान 'शिवोलकार' म्हणटात. शिवोलकार भोवूच उमेदी स्वभावाचें, नाच - गाण्याचें शौकीन, आपणाल्या घराण्याची तांका भोव व्हडवीक जावं क्रिसतांव, जांव हिंदू भावकायेन रावतात आपलो समाज एकवटान मुखार व्हरतात.

शिवोले हो गांव शापोरा न्हंयचे देगेर असल्या कारणान गांवांत खारवीं समाजाचें लोक आमकां मेळटा. न्हंयच नुस्तें काडून शिवोलेच्या तशेंच गांव भायल्या बाजारांत विकतात. भंडारी , म्हार, चामार, शेटयां, बामणां, आदी ह्या सारके लोक समाजांत दिसतात .

शिवोले हो गांव संस्कृतायेन भरिल्लो दिसता. ह्या गांवांत जायते कार्यक्रम जातात आनी लोकांनी आपली संस्कृताय तिगून दवरला. 15 ऑगस्ट ह्या दिसा गांवान नव्याचें फेस्त जाता. ह्या फेस्ताक कणसाचें फेस्त अशें म्हूण वळयतात. फेस्ता दिसा सकाळीं इर्गजेचो पाद्री लोकांक घेवन नव्याच्या खुरसां लागीं वचून थंय आशिल्ल्या शेतांत देवून पयलीं कणसांची प्रार्थना करता. उपरांत मूठभर भाताच्यो कणश्यो कापता. त्यो

कापिल्ल्यो कणसां घेवन इर्गजेत येता आनी मीस दिवपाक सुरवात करता. मीस जाल्या उपरांत तीं कणसां सगळ्यांक इल्ली वाटतात.[12]

तशेंच शिवोले गांवांत हिंदू क्रिस्तावांचो जागर जाता. ह्या जागराक सुमार हजार वर्सांचो इतिहास आशिल्लो आमकां मेळटा. जागर डिसेंबराच्या निमाणें सोमाराक गांवचे हिंदू आनी क्रिस्तांव भाव एकठांय येवन करतात. जागरांत मानाची अशीं सात घराणीं आमकां पळोवंपाक मेळटात. मनोरंजनाचें साधन म्हूण जागराक गांवचे लोक तियात्र करतात. जागरा दिसा पुराय रात तें जागतातानी देव दुतांक होरायतात.

शिवोले गांवांत मुखलपणांन 3 सुवातांनी नाटकां जातात तीं पळोवंपाक मेळटात.  एक दांडा वाड्यार, दुसरें शेळीन आनी तिसरें राय हांगा जातात. हीं नाटकां पळोवपाक लोकांची भोव गर्दी आसता. नाटकां पौराणीक, इतिहासीक, विनोदी वा समाजीक स्वरूपाचीं आसता. आतांच्या काळार कांय गांवची बायलां आपूण एकठांय येवन लेगीत नाटकाची एक रात आपलें नाटक सादर करतात.

आदल्या काळार बायलांक मनोरंजनाचें कांय साधन नाशिल्ल्यान बांयलां एकठांय येवन धालो खेळटात. त्याच प्रमाणे  शिवोलें गांवान जायत्या जाग्यांचेर धालो जाता. सगळ्यांन पयलीं शेळ हांगां धालो जाता. उपरांत हेर वाड्यांनी जाता. ह्यो धालो जाल्या बगर गांवांत खंयच्याच वाड्यार धालो करपाक मेळना.  देखीक दांडा वाड्यार खाजनेश्वर देवळांत

आशिल्ल्या धालांच्या मांडार 5 दीस जाता. तशेंच गुडें हांगा 2कडेन धालो जातात. एक काळोबा देवस्थानार आशिल्ल्या धालांच्या मांडार आनी दुसरें भिंगेश्वर देवळांत आशिल्ल्या धालांच्या मांडार. तशेंच मागीर राय हांगा दाडोबाच्या देवळांत धालो जाता.

अशें तरेन शिवोले गांवची संस्कृताय खूप गिरेस्त आसा हे जाणवता.

## 2.3 शिवोले गांवचो पारंपारीक आनी आधुनीक वेवसाय.

शिवोले गांवचे लोक कश्टी आशिल्ल्यान आपणाल्या पोटा पाणयाचो प्रश्न सोडोवपाचो भर तांच्या माथ्यार आसता. गांवचे लोक शेतकाम, नुस्तें धरप, सूर काडप अशें पारंपारीक वेवसाय करतात. गांवांतल्या चडश्या लोंकांचे वेवसाय गांवच्या मातयेकडेन जुळील्ल्या नात्यांत आसा.  गांवची माती पिकाळ आसा म्हूण गांवचें लोक वर्साक दोन वेळां शेत करतात. शेतांत भात, हळसांणें अशें पीक पिकून तें विकून घर चलयतात.

तशेंच शापोरा न्हंय कितल्याश्याच शिवोलकारांचें पोट भरता. न्हंयत मेळपी ताजें नुस्तें लोक धरतात आनी तारीर बाजारांत व्हरून विकतात. लोकांनी जाळें , बोटी, लांच, काटाळी आदी ह्या सारकें नुस्तें धरपाच्यो वस्तू शिवोले गुडें ह्या वाड्यार पळोवंपाक मेळटात. दादलें नुस्तें धरपाचें काम करता आनी बायलां नुस्तें विकपाचें काम करतात.

गांवांत कांय लोक माडाची सूर काडटात आनी ती विकतात. तांका शिवोलेंचे 'माडकार' म्हूण वळखतात. तें सकाळचें, दनपारचें आनी रातचें अशें दिसाक तीन फावट माडार वयर चडून सूर काडटात. अशें हें कश्टाळू शिवोलकार आमकां आतां गांवांत कमी प्रमाणान पळोवपाक मेळटात तशेंच तीं काडिल्ली सूर म्हापसा, तारीर, पेडण्या ह्या सारक्या बाजारांनी विकतात तशेंच. शिवोले गांवचे आधुनीक वेवसाय करपाक तरणाटे मुखार सरतात. गांव दर्याच्या देगेर आशिल्ल्यान  देशी विदेशी लोक चड प्रमाणान गांवान भेट दितात. ह्या लोकांक रावपाक घरां, गाडयो गांवचे तरणाटे लोक भाड्याक दितात आनी पयशें  कमयतात. तशेंच गावांत आशिल्ल्या उडो नांवाच्या दर्यार कांय लोकांनी हॉटेला बांदल्यांत, कांय लोक आडसारां वा हेर खाद्य पदार्थ विकतात, गांवच्या लोकांनी कायाकिंग ह्यो बोटींचो धंदो सुरू केला आनी तांका बरो प्रतिसाद मेळिल्ल्यान हें गांवचे आधुनीक वेवसाय मुखार सरतात.

## 2.4 शिवोले गांवच्यो परबो आनी धर्मीक उत्सव.

शिवोले हो गांव उत्सवी लोकांनी भरिल्लो आमकां पळोवंपाक मेळटा. गांवांत जायतें सण, उत्सव, परबो लोक व्हडा उमेदीन मनयतात. जावं क्रिस्तांव जांव हिंदू एकवटान वांटो घेतात.  सगळ्यांन व्हडली गांवची परब म्हळ्यार शिवोलेच्या गिये सायबिणीचें फेस्त डिसेंबराच्या निमण्या आयताराक जाता. पुराय शिवोलचें क्रिस्तांव भाव सकाळीं इगर्जेत मिसाक

वतात. आनी मीस जाल्या उपरांत एक मेकांचो उमो घेवन फेस्ताची परबीं भेटयतात. तशेंच कांय हिंदू भावांची उपस्तिती मिसाक आमकां पळोवंपाक मेळटा. त्या दीस सगळें शिवोलकार फेस्ताक गांवांत मेळपी माडाच्या सुरीची सान्ना करतात. इर्गजे फुडल्यान जायती फेरी भरतात. खाजें, चणें, बोमाडें, खेळणी आदी ह्या सारकें मांड आसतात. तशेंच लोक मेणवाती, तेल फुलांचे हार सायबिणीक घालपाक भायर विकतना दिसतात.

शिवोले गांवांत सांजावाची परब खूप मोठ्या उत्सावान मनयतात. जून म्हयन्याच्या 24 तारखेक गोंयभर लोक सांजाव मनयतात. पूण सगळ्यांक व्हड सांजाव शिवोले गांवांत मनयतात अशें जाणकारांचें मत आसा. सकाळीं शिवोलेच्या सेंट जॉन कोपेलान प्रर्थना जाता आनी मागीर पुराय दिसभर घुमटां, म्हादें आनी कासाळें वाजयत ओवयो गायतात. तशेंच शिवोलें सेंट अॅन्थोनीच्या इर्गजे मुखार लोक वाचत नाचत गायत थंय खोस मनयतात. गांवचो नवो जावंयाक मानाचें सांजावाक आपोवणें आसता. त्या दिसाक ताका थंय मुखेल सोयरो म्हूण मान दिता. जेवण करतात, फळां वाटतात, सोरो पितात. तशेंच बोटिंची सर्ती आसतात. पूराय गोंयभरच्यो बोटि लोक घेवन येतात. हिंदू तशेंच क्रिसतांव भाव माथ्याक फुलांची कोपेला घालतात आनी सांजाव मनयतात.

म्हाताराजेश्वर देवळान 27 जानेवारी ह्या दिसा वर्सान वर्स जात्रा जाता. ह्या जात्रेक पूरय दिस लोक वावूरतात आनी दनपारां पूजा जाल्या उपरांत पोंबूर्फेकार घरांत जेवण जेवतात. पूराय दिस लोक पाया पडटात आनी रातचें दशावतातरी नाटक सादर जाता तें पळयतात.

गांवान लोक चवथ, दिवाळी नाताल ईद ह्या सारक्यो परबो व्हडा उमेदीन मनयतात.

# संदर्भ

1. D'Cruz, Sebastian. *St. Anthony's church and History of Village of Siolim and Marna*. Panjim: New Age Printers,1994.
2. विठू कृष्णा तोरस्कार (शिवोले) हांची 17 डिसेंबर 2023 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत.
3. https://www.census2011.co.in/data/town/626690-siolim-goa.html.
4. कन्हैया शिरोडकार (शिवोले) हांची 18 डिसेंबर ह्या दिसा तांच्या घरा रातच्या 8 वरांचेर घेतिल्ली मुलाखत.
5. D'Cruz, Sebastian. *St. Anthony's church and History of Village of Siolim and Marna*. Panjim: New Age Printers,1994.
6. D'Cruz, Sebastian. *St. Anthony's church and History of Village of Siolim and Marna*. Panjim: New Age Printers,1994.
7. D'Cruz, Sebastian. *St. Anthony's church and History of Village of Siolim and Marna*. Panjim: New Age Printers,1994.

8. D'Cruz, Sebastian. *St. Anthony's church and History of Village of Siolim and Marna*. Panjim: New Age Printers,1994.
9. D'Cruz, Sebastian. *St. Anthony's church and History of Village of Siolim and Marna*. Panjim: New Age Printers,1994.

10. नाईक, महादेव शांबा. 'शिवोली', महादेव शांबा नाईक, गुडें शिवोलो, बार्देस गोवा.2013.
11. नाईक, महादेव शांबा. 'शिवोली', महादेव शांबा नाईक, गुडें शिवोलो, बार्देस गोवा.2013.
12. D'Cruz, Sebastian. *St. Anthony's church and History of Village of Siolim and Marna*. Panjim: New Age Printers,1994.

# प्रकरण-तिसरें

## 3. शिवोले गांवचो जागर: एक संक्षिप्त नियाळ.

शिवोलेचो जागर हें लोकनाट्य धार्मीक एकचारा खातीर गोंयांत खूब फामाद आसा. ह्या एकवटा खातीर हो जागर फक्त गोयांतूच न्हय तर पूराय जगभर हिंदू क्रिस्तावांचो एकवट आमकां ह्या जागरांत दिसता. शिवोले गांवचे लोक एकठांय येवन वर्सान वर्स जागर सादर करतात. हें एक त्या जागराचें खाशेंलपण. शिवोलच्या जागराक 'हिंदू - क्रिस्तावांचो' जागर अशेंय म्हण वळखतात. कारण, हांगा हिंदू आनी क्रिस्तांव भाव एकठांय येवन व्हडा उमेदीन आनी भक्तीभावान हो जागर करतात. ह्या जागराची थारावीक अशी तिथी आसता. नातालांची परब जाल्या उपरांत येवपी पयल्या आयतारा शिवोले सेंट ॲन्थोनीचे फेस्त जाता आनी दुसरे दिसा सोमारा जागर जाता.

जागराची पूर्व तयारी म्हूण येसाय मारतात. ती येसाय बुधवार, शुक्रार आनी आयतार अशे तीन दीस आसता. जागराची सुरवात रातच्या 10 वरांचेर जाता. जागराचे मानकरी जागराच्या आदिस्थानार नमन घालून वेग वेगळ्यां वाद्यांच्या तालाचेर नाचत गायत जागराच्या मांडार येतात. या मांडार वचपाच्या प्रवासाक 'सुंवारी' अशें म्हणटात. हाचे उपरांत मांडार सुरवात जाता. पयलीं, भरभरयाचो नाच जाता. ह्या नाचांत गांवचे तरणाटे, चले भुरगे तशेंच जागर पळोंवपाक आयिल्ले चले भुरगे भाग घेतात. ह्या नाचाची आपली अशी खासा पद्दत आसा. हाचे उपरांत सईद

हें पात्र येता. सईदाचो नाच सोपचे पयलीं फिरगीं राजा येता. दोगूय नाचतात आनी एकमेका वांगडा संवाद सादतात. हाचे उपरांत दोन मावळिनी येतात तीं नाचतात. उपरांत एक माळी येता. तो आपले संवाद म्हणटा आनी मावळिनी वांगडा नाचता. उपरांत दुसरो माळी येता आपले संवाद म्हणटा आनी वचून तांच्या वांगडा नाचता. हांचो नाच जाले उपरांत जागरयो नाचता. ह्या नाचाक 'घडघडयाचो' नाच अशेंय म्हणटात. घडघडयाक संवाद ना. तें पात्र वाद्यांच्या आनी ओवयांच्या आदारान नाचतात. जागरांतलें हें एक मुखेल पात्र. हाचे उपरांत तियात्र जाता. आनी तियात्रा उपरांत फांतोडेर म्हार आनी म्हारीण आशीं दोन पात्रां येतात आनी पेरगांव घालतात. जागर सोंपोवच्या पयलीं मांडार मानकरी गाराणें घालतात. उपरांत  म्हारीण आनी हेर गांवचें लोक कांय घरांनी भोंवतात तेन्ना त्या घरांतली लोक ताका सान्ना, खाजें, लाडू अशें खाण म्हारणीच्या सुपलेंत घालतात. मागीर तें आदिस्थानार येवन नमन घालतात आनी गाराणें घालून जागर सोपता.

## 3.1 जागराची इतिहासीक फांटभूंय.

एका वेळार टी.वी, रेडीयो,मोबायल, ह्या सारकिल्लें मनोरंजनाचें कांयच साधन नाशिल्लें. लोक पुराय दीस शेतांनी काम करताले, गोंरवां फाटल्यान वताले, नुस्तें धरताले, सूर काडटाले आनी थकत घरां येताले. आपल्या

मनोरंजना खातीर थळाव्या लोकांनी जागर करपाचें थारायले अशीं जाणकारांचीं मतां आसात.

जागराची सुरवात केन्ना जाली हाचें आमकां कांयच लिखीत पुरावे मेळनात. शिवोलेचो जागर सुमार 900 - 1000 वर्सा पयलीं सुरवात जाल्लो अशें जाणकार सांगतात.  हें मत पटोन दिवपाक तें म्हणटात जागराच्या ओंवयांनी तांका एक उतर मेळटा तें म्हळ्यार 'अशरफी' . हें उतर गोंयांत अदिलशाहीचें राज्य चलतालें तेन्ना वापरताले. 'अशरफी' म्हळ्यार अदिलशाहीचें चलन वा नाणें. अदिलशाहीचें राज्य तें आतां मेरेन आमकां 900 - 1000 वर्सांचो आस्पावं मेळटा.  पूण जागर खंयच्या वर्सा सुरु जालो हाचो आमकां खंयच उल्लेख मेळना. [1]

शिवोलेचो जागर आयज ज्या जाग्यार जाता थंय पयलीं तो जाय नासलो. आदी हो जागर बामणवाडो ह्या जाग्यार जातालो. दांडो आनी गुडें वाड्यावयले लोक थंय वाद्यां वाजोवंक वताले. एक फावट ते लोक दांडो आनी गुडें ह्या दोन वाड्यांवयल्या लोकांक जागर करपाक रावले नात. दाण्याकारांक सोडून तांच्यानी जागर करपाक सुरवात केली.  ह्या कारणाक लागून रागान दांडो आनी गुडे वाड्यावयल्या लोकांनी जागराचें प्रतीक म्हूण मानपी सुपली चोरून हाडली. हीं सुपली मानींच्या बेळांनी तयार करतात, तातूंत एक पणटी पेटिल्ली आसता आनी तें सुपलेंत फुलांचो हार घातिल्लो आसता. ही सुपली हाडून ताच्यांनी दांडा ह्या

वाड्यार दवरली. थंय एका उक्त्या मळार ल्हानशी खोपटेची घुमटी तयार केली. तिच्या चार वाटेन काकडे पेटयलें. खोपिच्या मळार मर्दी उजो पेटोवन ताच्या भोंवतणी लोक बसून शिरोडकार घराण्याचे लोक ओवयो म्हणपाक लागले आनी हेर गांवचे लोक वाद्यां वाजोवन नाचून आनी संवगां खेळोवन जागर करपाक लागले.   सुपली चोरून  हाडली त्या रातीकच्यान जागराक सुरवात करपाची चाल पडली. ह्या कारणाक लागून बामणवाडो हांगा जागर जातालो तो जागर दांडा ह्या वाड्यार जावपाक लागलो आतां बामणवाडो हांगा जागर जातालो थंय जागराचे कसलेच पुरावे मेळनात.  थंय आतां शिवोले मतदार संघाची मार्ना पंचायत उबी आसा. आदीं दांडा आनी गुडे हे दोन वाडे नासले तर एकूच व्हड वाडो आसलो. पूण आतां आमकां दांडो आनी गुडे अशे हे दोन वेग वेगळे वाडे जाल्ले पळोवंपाक मेळटात. [2]

गोंयांत जायत्या राजवटींनी राज्य केला पूण पोर्तुगेज राजवटीच्या काळार कांय हिंदू भावांक तांच्यानी बाटयले. तांका क्रिस्तांव केले. काय लोक जागरांत संवगा करताले ते लेगीत बाटले. पूण तांच्यानी जागर करपाचो सोडलो ना. कारण तांका आपली मूळ संस्कृताय जपून दवरपाची आसली. हिंदूनी मात ह्या नवक्रिस्तांवाक आपलो साथ जागर करपाक दिलो ना. जागराची सवंगा करपाक आनी ओवयो गावपाक ते न्हयकारपाक लागले तशेच ते फकत जागर पळोवन घरां परतताले. जाणकाराच्या मता प्रमाण

सुमार देडशीं वर्सा हो जागर नव क्रिस्तांव लोक सादर करताले. आपूण स्वता संवगां खेळोन ओंवयो गायताले. तेन्ना सावन ओंवयांनी जायतो बदल दिसपाक लागलो. ह्या ओंवयांनी आतां आमकां हिंदू क्रिस्तावांचो प्रभाव दिसता.[3]

जागरांत ते लोकांच्यो वायट गजाली वयर काडटाले, बायलांचेर वा चलयांचेर टिका करताले, तांची फकांडां करताले तशेंच पोजडेपणां दाखयताले. हाका लागून जागरांत लोकांची एका मेकांची झगडीं जावपाक लागलीं. जागर हो धार्मीक विधी उरनास्तना ताका एक वायट रूप येवपाक लागलें. हाची खबर शिवोलेच्या विगाराक कळ्ळी. विगारान तांका आपोवन व्हेले आनी तांकां जगर बंद करपाक सांगलो. तेन्ना नवक्रिस्तांवानी सांगलें की आमी जागर बंद करीत पूण गांवचे हिंदू हो जागर बंद करपाक दिवचेनात. कारण हो जागर फक्त आमचोच न्हय तर तो हिंदूंचोय आसा. हें आयकोन विगारान आपल्या सहाय्यकांक जागर पळोवंपाक धाडले. सांगलें की जर तांका हिंदू भाव भाग घेतात तें दिसना जाल्यार जागर बंद करचो पडटलो. अशें आयकून नवक्रिसतांव भाव शिवोले गांवच्या दांडो ह्या वाड्यार रावपी शिरोडकरांगेर गेले आनी तांका जागरांत भाग घेवपाक विनोवणी केली. जर भाग घेनात जाल्यार शिवोलेचो जागर बंद पडटलो अशें सांगलें. जागर बंद पडचो न्हय म्हूण शिरोडकरांच्या पुर्वजांनी फुडाकार घेवन जागरांत परत भाग घेवपाक

सुरवात केली. शिरोडकारांनी जागराच्यो ओंवयो नव क्रिस्तांवाकडल्यान शिकून घेतल्यो. ह्या कारणाक लागून जागरान सुमार देडशीं वर्सानी हिंदू भाव ओंवयो गावपाक लागले. मदर मेरीच्या पूताची तुस्त गावपाक लागले. विगाराच्या सहाय्यकांनी पळयलें की जागरांत फकत देवाची होरावणी आनी नमन जाता.

बायलां भुरग्यांचेर वायट नदरेन टिका जायना जाली. वेगवेगळीं पात्रां जागरान येतात, नाचतात, गायतात. तशेंच हिंदू आनी क्रिस्तांव एकिकडेन बसून वाद्यां वाजयतात. अशे तरेन विगारान जागर बंद करपाचो विचार फाटी घेतलो. दोनूय धर्मातले लोक मेळून जागर करपाक लागले. ही शिवोलेच्या जागराची आनी म्हत्वाची अशी गजाल. हिंदू तशेंच क्रिस्तांव समाजाचें लोक एकठांय येवन जागर करपाक लागलें. म्हूण ह्या जागराक हिंदू क्रिस्तांवाचो जागर अशें म्हणटात. माळी - माळिणीचें पात्र आनी ओंवयो गावपाचो मान शिरोडकर घराण्यांक दिल्लो. जागरांतली हेर सवंगां क्रिस्तांव घराणींच करतात. नव क्रिस्तांवा वांगडा जागरांत ओंवयो गावपाक सुखदेव नायक शिरोडकर हाणें सुरवात केली. हाचे उपरांत हिरजी नायक शिरोडकर, एन जी नायक शिरोडकर, कुकुली नायक शिरोडकर, विठ्ठल नायक शिरोडकर, देवराज नायक शिरोडकर, विठ्ठल देवराज नायक शिरोडकर, कन्हैया विठ्ठल नायक शिरोडकर हे ओंवयो गायतात. "जागरांत 57 वर्सां विठ्ठल देवराज नायक शिरोडकर हांणेय

ओवयो गायिल्ल्यो. आतां तांच्या मरणा उपरांत कन्हैया शिरोडकर हे 2014 वर्सा  सावन तें आता मेरेन ओंवयो गांवपाचें काम करता.[4]

## 3.2 जागराचें मानकरी.

विधी नाट्य करतना थारावीक घराण्यांक मान दिल्लो आसता. कोणाकूय हे विधी नाट्य करपाक मेळना.  त्याच तरेन शिवोलेच्या जागरांत लेगीत आमकां संवसारांतली वर्ण वेवस्था दिसता. देखीक ब्राम्हण हांचे जागराचें पुरोहीत, क्षत्रिय हांचे फिरंगी राजाचें पात्र, वैश्य हांचें माळी आनी मावळणीचें पात्र आनी शूद्र हांचें म्हार आनी म्हारिणचें पात्र. तर हांचो उल्लेख घेतना आमकां कळून येता की  शिवोले गांवांत दांडा वाड्यार 7 घराण्यांच्या लोकांक हो मान आसा वा ते जागराचे मानकरी अशे म्हणटात. फेर्नांडीस-1, फेर्नांडीस -2, डिसोझा, काब्राल, पेरेरा, रोड्रिगीस हे 6 क्रिस्तांव घराबे आनी 1 शिरोडकार घराबो अशे हे 7 घराण्यांतल्या लोकांक जागरांत मान आसा.

हो मान ह्या घराण्यांतल्या लोकांक दिलो कारण जागर बंद पडपाच्या पांवड्यार आसलो तेन्ना हांच्यानी एकठांय येवन एकवटान जागराक बंद पडपाक दिलो ना तो मुखार चालूंच दवरलो. शिरोडकार घराण्याक ओंवयो गावपाचो आनी माळणी हें पात्र नाचपाचो मान फावो जालो. तशेंच

भरभरैय्याचें पात्र नाचपाचो मान फर्नांडीस घराण्यांक दिला. साईद हें पात्र नाचपाचो मान पेरेरा घराण्यांक आसा. ताच्या वांगडा नाचपी राजाचें पात्र डिसोझा घराण्याक आसा. तशेंच माळी हें पात्र फर्नांडीस आनी शिरोडकार ह्या घराण्यांक आसा. जागरयो हें पात्र देवाचें आनी हो मान रोड्रिगीस घराण्यांक दिला. म्हारिणीचें पात्र हो मान काब्राल घराण्यांक आसा. म्हार हें पात्र पेरेरा घराण्यांक आसा. ताच्या उपरांत येवपी म्हाराची चली हो मान रोड्रिगीस घराण्यांक दिला. म्हाराचो चलो जो मेस्त घराण्यांक मान दिल्लो आसा. जागरान कोणूय येवन नाचपाक शकनात वा गावपाक शकनात. गांवांन वयले प्रमाण पात्रांचे मान वाटून दिल्ल्यान हांगा समाजीक एकवट आमकां पळोवंक मेळटा.[5]

जाणकाराच्या मता प्रमाण आयज आमकां ह्या पात्रांनी थोडो बदल पळोवंपाक मेळटा. तांका दिल्या माना प्रमाण तें पात्र नाचना. पूण थोडी सुरवातीच्या काळां पासून आयज लेगीत तशींच आसा. एकादे पात्र नाचता तो मनीस भायर पडलो आनी ताच्या जाग्यार दुसरो मनीस नाचतलो जाल्यार पयलीं गांवच्या देवाकडे प्रसाद घेता. म्हळ्यार देवाचो शब्द घेता. ताच्या हयकाराक रावता आनी देव हय म्हणटा जाल्यारूच तो जागरान नाचपाक शकता.

## 3.3 जागराची पुर्व तयारी.

कसलेंय नाट्य करतलो जाल्यार ताका पयली तयारी करपाक पडटा. त्याच तरेन शिवोलेच्या जागराक लेगीत पुर्व तयारी भोव म्हत्वाची थारता. ही तयारी करपाक एक थारावीक वेळ आसता.

### 3.3.1 फोवांचे परबेंतल्यान दिसपी गांवचो एकचार.

शिवोले गावांत व्हडले दिवाळे आनी धाकटें दिवाळे मदीं फोवांची परब जाता. पूण ही परब दिवाळें मदीं खंयच्याय दिसा करपाक मेळना. ती फक्त आयतार वा बुधवारा रातची उसरां करप आसता असो गांवचो नियम आसा. ह्या दोनूय दिसांतल्या खंयच्याय एका दिसाक ही परब जाता म्हूण जाणकार सांगतात.[6]

ही परब जाली की गांवात जागराची सुरवात जाली अशें थळावे लोक मानतात. खाजन शेताक आनी दर्याक म्हळ्यार 'भायलो हुडो' ह्या जाग्यार खाजनेश्वराच्या थळात परब जाता. त्या जाग्याक परबेच्या आंब्याकडे अशेंय म्हूण वळखतात. ही परब करपा फाटल्यान एक आख्यायिका आसा.

शापोरा न्हंयतले उदक गांवात शेतांनी भाताच्या पिकावळीच्या वेळार वचून भरतालें. हें उदक भरिल्ल्यान गांवच्या शेतांनी भाताचो नास

जातालो . लोक ह्या कारणाक शेतांत बांद घालताले. पूण बांद घालून लेगीत हें उदक आडावपाक शकना आसलें. बांदाक खांवटें पडून शेतां खऱ्या उदकान भरतालीं. हाका लागून गांवच्या लोकांनी ब्राह्मण देवा कडेन मागणी केली.पूण , ब्राह्मणा कडेन  उदक आडोवंक शक्य जालें ना. अशा वेळार, ब्राह्मण देवान वायुरुपी अद्‌भूत शक्तेक होरावन ताचें कडेन मदत मागली. हे वायुरुपी शक्तेन उदक आडोवन खाजन शेताची राखण केली. ह्या  कारणाक लागून हे वायुरुपी शक्तेक 'खाजनयो' हें नांव दिलें.[7]

खाजन शेतां हांचे मदले सुवातेर ह्या देवाक भावार्थान स्थान दिलां. थंयच ताचें पेड आसा आनी ह्या पेडार परबेचो भार जाता. ह्या  खाजनया देवान गांवच्या शेतांनी उदक येवपाचें बंद केल्ल्यान आनी शेतांची राखण केल्ल्यान ताचे उपकार म्हूण  गांवचे लोक वर्सान वर्स ताच्या नांवांत फोवांची परब करून देवाक मान दितात. पुराय गांवांत जीं शेतां आसा त्या सगळ्यां  शेतांतल्यान शेतकार एक-एक कुडोव भात मळणेच्या वेळार दिता. हें एकठाय केल्लें भात गणेश शिरोडकार हांच्या घरांत दवरतात. हो मान तांका लोकांनी दिल्लो आसा. तशेंच पिकिल्ल्या भाता पासून सुरय तांदळांच्यो अळणी भाकऱ्यो केळीच्या पानार थापून परबेक व्हरतात. गांवचे लोक परबेक नाल्ल व्हरतात. खाजनयो पाकटेकार अशें लोक म्हणटा. म्हणल्यार दर्यांत वचपी पागप्यांची तो राखण करता. देवचार

खाजनयाचो रातच्या वेळार भार येता. या भारांत तो जागराचे येसायेक सुरवात करची म्हूण नाल्लाच्या रुपान उतर दिता. भारार तो नाल्ल फेर्नांडीस घराण्यांतल्या दादल्या मनशाच्या हातांत दिता. नाल्ल दिवच्या पयलीं खाजनयो भारार विचारता "पिक्यालो कोण येयला रे." म्हळ्यार फेर्नांडीस घराण्यांतल्यान कोण आयला? तेन्ना फेर्नाडीस घरण्यांतलो मनीस मुखार येता आनी नाल्ल घेता. उपरांत लोकांनी दिल्ल्या भाताचें गांवकार फोव काणून हाडिल्ले आसता ते एक वेगळेच तरेन कालयतात. सगले फोव व्हडले सळयेर घालतात आनी ते खोऱ्यान कालयतात. आयज फोव सळयेर कालोवपाची तरां आमकां दिसना  पूण परंपरा म्हूण सुरवातेक खोरें फोवांक लायतात आनी तातूंत लोकांनी हाडिल्लें नाल्ल आनी गोड घालून मागीर ते हातान कालयतात. तांच्या उपरांत हें फोव परबेचो प्रसाद म्हूण पयलीं देवाक दितात आनी उपरांत लोकांक वाटतात. बायलां ह्या परबेक वचनात फक्त दादलेच वतात. परबे दिसा गांवच्या लोकांनी रातचें शिमें भायर वचप नासता असो लोकांचो भावार्थ आसा. कारण, कोण गांवा भायर परब सोडून गेलो जाल्यार देवाचो अपमान जाता अशें गांवचें लोक मानतात.

परब रातच्या 10 - 11 वरांचेर सुरू जाता आनी सुमार 2 वरांचेर सोंपता. उपरांत लोक आपआपल्या घरा वतात. परब बुधवारां वा आयतरां जाल्या उपरांत येवपी पयल्या शुक्रारा फेर्नांडीस घराण्याच्या आंगणांत जागराचें

आदिस्थानाकडेन गांवचे लोक एकठांय येतात.  परबेक ह्या गांवकाराकडेन दिल्लो नाल त्या आदिस्थानार येवन घुमटेंत दवरता. सांगणें करून येसायेक सुरवात करता.[8] (परिशिश्ट 4 पळोवचें)

### 3.3.2 जागराची येसाय.

परबे उपरांत येवपी शुक्रारा जागराचे येसायेक सुरवात जाता. परबेक फेर्नांनडीसाच्या घराण्यांक दिल्लें उतर म्हळ्यार परबेचो एक नाल जागराच्या आदिस्थानाकडेन आशिल्ले घुमटेंत तो दवरता. हो ताका जागराक दिल्लो एक मान अशें थळावे लोक मानतात. जागराची येसाय शुक्रारां सुरवात करता म्हूण ताका गावांत पेरगांव घालचें पडटा. हें पेरगांव गांवचो दुसरो कोणूय घालपाक शकना आसो गांवचो नियम आसा.[9]

ही येसाय जागराच्या मांडार जायना तर जागराच्या आदिस्थानार एक जागराची ल्हान घुमटी आसा थंय रातच्या 10:00 - 10:30 वरांचेर जाता. येसाय दर दिसा जायना . ह्या येसायेक कांय थारावीक दीस आसात त्याच दिसा येसाय जाता. ते म्हळ्यार आयतार ,बुधवार आनी शुक्रार अशी सप्तकांतल्यान तीन दीस येसाय जाता. जर गांवचो कोणूय दीस भायर पडलो जाल्यार येसाय मारिनात. (परिशिश्ट 4 पळोवचें)

येसायेच्या पयल्या दिसा कन्हैया शिरोडकार हांच्या घराण्यांतल्यान येसायेक नाल्ल व्हरचो पडटा. सगळे गांवचे लोक ह्या आदिस्थानार जमले म्हणटकच जागराचो पुरोहीत कन्हैया शिरोडकार घुमटेकडेन गाराणें घालता. गाराण्यांत तो जागरयाकडेन मागता की जागराची सुरवात ते शेवट मेरेन कसलींच अडचण येवं नाका. जागर बरे तरेन करून घे. तशेंच गांवची शेतां- पिकावळ बरीं जांव, जागरयाचें लक्ष सगळ्यांचेर आसचें. हें गाराणें जातकच सुत्रदार कन्हैया शिरोडकार वचून एका मानाचे सुवातीर बसता. ताच्या मुखार जमनीर सोंण्णाचो उजो घालतात ह्या उज्याच्या सरभोवतणीं सगळे बसतात आनी वाद्यां वाजयतात. हीं वाद्या गांवचें तरणाटे वाजयतात. कन्हैया शिरोडकार जागराच्यो ओंवयो म्हणटा. जागराची येसाय नमन घालून सुरवात जाता.

येसायेक जागराचीं सगळीं पात्रां ओंवयांच्या आनी वाद्यांच्या तालार नाचतात. जें जागराक जाता तितलेंय येसायेक जाता. पूण पात्रां आपले सदांचेच कपडे जे घरांत घालतात ते घालून येसायेक नाचता. जागराची निमाणीं येसाय जागर जावच्या पयलींच्या शुक्रारां जाता. ह्या येसायेक लोक चणें, चिरमुल्यो, सोरो वा हेर खाणां हाडून आदिस्थानार घुमटेकडेन दवरतात आनी येसाय सोंपता तेन्ना हें सगळें देवाक दवरतात. सोरो हो वायट प्रवृत्तीचें प्रतीक अशें आमी मानतात. पूण जागर हो थंडेच्या दिसानी जाल्ल्या कारणान वाजोवप्यांक भितरल्यान हुनसाण मेळची म्हूण हो

सोरो येसायेक हाडप जातालें. येसायेच्या शेवटाक पुरोहीत गाराणें घालता. गाराण्यान पयलो मान गांवचे श्री सांतेरी देवीक दिता आनी मागणें करतात. तशेंच जागरयाकडेन मागतात की ह्या वर्साचो जागर तुजे कृपेन बरो, कसलीच अडचण येना आसतना जावं. हें जाल्या उपरांत देवाक प्रसाद दवरतात आनी लोकांक वाटतात. ही येसाय पळोवपाक गांवचीं हेर उमेदी बायलां तशेंच चलयो, भुरगीं येतात. बदल्लिल्या काळां प्रमाण जागराचे कमिटी मेंबर जागराच्या पयशांनी फकत निमाणें येसायेकूच न्हय तर हेर येसायेक थंड पेय आनी सामोसा, तशेंच बटाटवडे वा हेर खाद्य खावपाक वाटतात. तशेंच आपल्या खोशयेन म्हूण गांवचें हेर लोक स्वतच्या पयशांनीय खाणां हाडून वाटतात. निमाणी येसाय रातच्या सुमार 2 वरांचेर सोंपता. उपरांत लोक घरां वतात.

## 3.4 जागराची स्वारी.

स्वारी म्हळ्यार गांवचें भुरगे, तरणाटे, जाणटे आनी पुरोहीत वाजत, नाचत, गायत जागराच्या आदिस्थानाकडेन आनी चाळार आशिल्ल्या सेंट कॉसेसांवाच्या कोपेला कडल्यान अश्या दोन वाटेनच्यान येतात. तांका एक पारंपारीक वा थारावीक वाट आसता. त्याच वाटेन तांच्यानी येवपाक जाय. मागीर दोनूय स्वारी एकठांय जावन जागराच्या मांडार वतात. जाणकार अशें म्हणटात की देव जागरयो आपल्या आदिस्थानार बसलेलो

आसता आनी ताका जागराच्या मांडार हाडपी ही ताची स्वारी. ताका हाडून मागीर जागराक नाचपाक सुरवात जाता.

जागरादिसा जागराच्या आदिस्थानाकडल्यान आनी चाळार आशिल्ल्या कॉशेशांवाच्या कोपेलाकडल्यान अश्यो दोन स्वारी येतात. सगळ्यांन पयलीं आदिस्थानाकडेन जागराचो सुत्रधार कन्हैया शिरोडकार आनी हेर वाजोवपी लोक जमतात. थंय येसायेक करतात तशेंच सोण्णांचो उजो घालतात आनी वाटकुळे बसून वाद्यां वाजयतात. तशेंच सुत्रधार नमन घालता आनी ओंवयो म्हणटा. कांय वेळ थंय वाजयतात आनी मागीर स्वारी कोपेलां कडेन वता. तशेंच जागरा मांडाच्या दुसरे वाटेन आशिल्ल्या कॉशेशांवाच्या कोपेलांकडेन अशेंच दृश्य आसता. थंय शिरोडकार घराण्यांतलो कन्हैया शिरोडकार हांचो भाव देवराज शिरोडकार ओंवयो म्हणटा आनी गांवचे चले भुरगे सोण्णाच्या उज्याक भोंवतणी बसून वाद्यां वाजयतात. उपरांत आदिस्थानाकडेन आसपी स्वारी मुखार सरता. ते एका थारावीक वाटेनच्यान नाचत , वाजयत आनी गायत जागराच्या मांडा पयली आशिल्ल्या सेंट जॉनाच्या कोपेलाकडेन येवन बसून वाजयतात. हांगां लेगीत पुरोहीत गांवच्या कोपेलाक मान दिता आसतना ताका नमस्कार करता आनी आदिस्थानार म्हणील्लें नमन परत एकदां घालता. हांगाय पुरोहीताची बसपाची सुवात खास आसता. हांगां कोपेला मुखार उजो घालून बसतात आनी वाजयतात तशेंच सुत्रधार ओंवयो

म्हणटा. दोनूय स्वारी कोपेलाकडच्यान उठच्या पयलीं एक ओंवी गयता देखीक:

**"सांता क्रुसा भाग्यवंता । (2)**

**आमी आयल्या सायबा काकुळवंता ।(2)**

**तुझी सावळी आमचेर सायबा घाल गा आतां। (2)**

**सर्वही समेस्तांचेर रे आ sss | (2). "**

दोनय सुंवाऱ्यो एकाच वांगडा दोनूय कपेलां कडच्यान एकाच वेळार उठप भोव गरजेचें आसता. तशेंच, दोनूय सुवाऱ्यो एकाच वेळार मांडार पावपाक जाय. जर एके सुंवारेक मांडार पावपाक कळाव जालो जाल्यार दुसरी सुंवारी तिका मांडा भायर रावता. दोनूय सुवाऱ्यो उपरांत एकदम मांडार भितर सरतात. जागराचे सुंवारे वांगडा मांडार चडपाचो पयलो मान स्व. मेरी फेर्नांडीस हांच्या घराण्याक आसा. दोनूय सुवाऱ्यो मांडार पावले उपरांत दोन वळी करून उबे रावतात. हांगासरल्यान जागर माचयेर सादर जाता. मांडार सुत्रधाराची बसपाची सुवात राखीव आसता. तशेंच वाद्यां वाजोवप्यांचीय सुवात थारिल्ली आसता. (अदीक म्हायते खातीर परिशिश्ट 4 पळोवचें)

स्वारी घेवन येतना हातान मशाली सारकीं चुडटांची चुडी पेटयतात. ही चुडी वयर सकयल नाचयत स्वारी घेवन येतात. आदल्या काळार वाटेक

लायली नाशिल्ल्यान ही चुडी उजवाडा खातीर पेटयतालें अशें जाणकार सांगतात.[10] (परिशिश्ट 4 पळोवचें).

स्वारी येतना कांय गळयांत फुलांचो हार घालतात आनी तरणाटें औंवयो वाजत नाचत गायतात देखीक:

**"आम्या तुजो ताळो रे कोणी मोडिलो । दाण्याकारा भुरग्यांनी खेळ मांडिलो॥"**

**"माथ्याक चेपें इलुताचें । अशेंच चोलोनी आमच्या भावांचें॥"**

**"शिवोलेचे पालकेक बारा तेरा हालके। यश दि गे भुमीके शिवोलेचे॥"[11].**

## 3.5 जागराचें स्वरूप आनी सादरीकरण.

हेर जागरां परस शिवोलेच्या जागराचें स्वरूप खूप वेगळें आसा हें आमकां जाणवता. हो जागर फक्त हिंदूचोच न्हय तर हो हिंदू क्रिस्तांवाचो जागर म्हूण संवसार भर ताची नामनां आसा. तशेंच ह्या जागरांत आमकां लोकांचो भार्वाथ देव जागरयो हाचेर आसलेलो दिसता.

सादरीकरणाचे बाबतीत पळयत जाल्यार जागराचें सादरीकरण खूप वेगळें आसा. सुमार 900 वर्सांचो इतिहास आशिल्ल्या ह्या जागरांत आमकां

समाजांतली वर्णवेवस्था दिसून येता. दर एकल्याक सादरीकरण करपाक मान दिल्लो आसता.

### 3.5.1 जागराच्या पात्रांतल्यान दिसून येवपी एकवटाची भावना.

जागराचीं स्वारी रातचें 11:00 वरांचेर दोनूंय वाटेंच्यान नाचत, वाजयत,गायत मांडार येता आनी सगळयांत पयलीं जागरांत नाचपाक पात्र येता तें 'भरभरैय्या'. हें जागराचें पयलें पात्र. हातूंत वाड्यावयलें तशेंच गांवा भायले भुरगे सुमार तीस चाळीस जाण मांडार येवन आर्क करून रावतात. घुमट वाजूंक लागता तशें त्या तालार वांटकुळें एका मेकाच्या खांदार हातधरून आपलें भेंड मोडून नाचूंक लागतात. हो मान फक्त फेर्नांडीस घराण्यांकूच आशिल्लो. पूण आतां हातूंत बदल जावन शिवोले गावचे उमेदी दादले ,चले ,तरणाटे तशेंच ल्हान भुरगे हातूंत वांटो घेतात. ह्या नाचांत थारावीक असो पोशाख वा रंगवण नासता. लोक आपल्याक जाय तशे कपडे घालून येतात. आतां कांय दादले हांगा बायलांचो भेस करून आनी तोंडाक मोवाळें घालून नाचतात. पूण जाणकारांच्या मता प्रमाण हो भेस भरभरयाच्या भेसाक लागना. हें फकत लोकांच्या मनोरंजनाक लागून करतात.[12] ह्या पात्रांक संवाद आसनात. ते ओंवयांच्या तालार नाचतात. ह्या नाचाच्या ओंवयांनी 'जागरयो' ह्या पात्राच्या भेसाचें वर्णन केल्लें आसता.

उपरांत 'साईद' हें पात्र येता ह्या पात्राचो मान पेरेरा घराण्याक दिल्लो आसा. पूण आतां हें पात्र अजीत शिरोडकार हो दादलो नाचता. हातूंत हें पात्र जोकरां सारकें न्हेसता, माथ्यार त्रिकोणी अशीं लांब टोपी आसता, हातींत कसाळें, रंगीत असो बुशकोट आनी पेंट घालून तो ओंवयांच्या आनी वाद्यांच्या तालार नाचता. ताच्या अर्धवर नाचांत तो थांबता आनी मर्दी आपलें संवाद म्हणटा. देखीक:

**साईद- "घालूनी उरी आणि डोंगरी साबार लोक आयला माणयेर माणी घालून बसला."**[13]

जागरांतलें हे विनोदी पात्र आसा. ताच्या नाचाच्या मर्दी फिरंगी राजा हें पात्र येता. हो मान डिसोझा घराण्याक दिला. हातूंत एक दादलो राजाच्या भेसांत येता. रंगबिरंगी आनी झगझगीत असो ताचो भेस आसता. आनी कमरेक तलवार आसता. तो आपणाले दोनूय हात कमरेर दवरून आपल्या पायांचो ताल चुकय नासतना नाचता. ताच्या अर्धवर नाचांत संवाद आसता.

देखीक- "**कोण कोण मुरे वो वानोर कोण कोण मुरे वो वानोर"**[14]

हाच्या संवदा उपरांत अशेंच साईद आनी फिरंगो राजा हांच्या दोगांय मर्दी कांय संवाद जाता. हें विनोदी संवाद आसतात. हो साईद राजाक संवादांतल्यान तिडक हाडटा. तेन्ना तांचे मर्दी जाल्लो संवाद -

**"सईद:- तूं या सोगल्या लोकांचे खायले आनी वोयले दामून धोरशी?**

**राजा:- जायन जायन इरीतार आनी कासार घालीन रे तुजे कुडीर दोबरात आनी तीबरात फार."[15]**

सईद आनी फिरंगी राजाचो संवाद चलता त्या वेळार सुत्रधार ओवयो गायना. राजा आनी सईदाचें संवाद सोंपले उपरांत सुत्रधार ओवयो गायता. हाचे उपरांत सईद वता आनी फिरंगी राजा एकटोच माचयेर एका पायार नाचता. आपल्या गितांतल्यान तो जेझूची आनी शिवोलच्या सेंट अँथनीची तोखणाय करता आनी फिरंगी राजा वता.

चौथें पात्र येता तें दोन माळणीं. हो मान शिरोडकार घराण्याचो आसा. हातूंत बायलेचें पात्र दादलेच करता. करण जागराच्या मांडार बायलांक येवपाक शक्य नाशिल्लें केन्ना तांची मासीक पाळी आसताली वा केन्ना ती गरभेस्त आसताली म्हूण तांचें पात्र दादलेंच खेळयताले. माळणी सारकें बायले भशेन साडी न्हेसून, माथ्यांत फुलां माळून येतात आनी हातांत रूमाल वा लेस घेवन तालार दोगांय वांगडाच नाचतात. तांका संवाद आसनात. तांचो नाच चालू आसतना मदीं पयलो माळी येता. हें पत्र खेळोवपाचो मान फेर्नांडीस आनी शिरोडकार ह्या घराण्यांक आसा. धवी धोती, धवो शर्ट, ताचेर एक कोटी आनी माथ्याक धवी टोपी असो तांचो पोशाख आसता. तो येवन आपलें संवाद म्हणटा :

**पयलो माळी- "फुलागे फुला शेंवती, मोगरे, कळे. फुल्ल्यार जातात दुवाळे आनी माळल्यार जातात चोले. अशी माजी फुलां घमघमीत आनी दमदमीत,"[16]**

उपरांत तो माळिणी वांगडा वचून नाचतात. दुसरो माळी येता आनी आपलो संवाद म्हणटात:

**देखीक :- "माळी गे माळी, आव वोडले गोंयचो माळी. आवेन लायल्यात दोन काळगीणीच्यो ओळी. तेका सोवकोल एक कोलो आनी एक कोली."[17]**

आपलो संवाद म्हणून दुसरोय माळी वचून तांच्या वांगडा नाचता. सुत्रधार ओवयो गायता.

हांच्या उपरांत 'जगरयो' हें देवाचें पात्र येता. हाका 'घडघडयो' अशेंय म्हणटा. हें पात्र खेळोवपाचो मान रोड्रिगीस घराण्याक आसा. हो शिवोलेचो वाठारो देव. जागरयो मोनो देव तो उलोवंक शकना करण तो नाचता तेन्ना ताचेर भार वा अवसर येना अशें जाणकार सांगतात.[18] तो धरपाक जाणा पूण सोडपाक नोकळो असो लोकांचो ताचेर भावार्थ आसा. म्हूण लोक ह्या देवाक मना काळजासावन मानतात.

हो देव आशिल्ल्या कारणान तांच्या लकलेर मुकूट म्हूण मालें आसता. हें मालें मानीच्या बेतांचें तयार केल्लें आसता. ताचेंर मेणवाती उजावडाखातीर लायतात. कारण, जागर रातचो जातालो आनी त्या वेळार

लायट नासली म्हूण वातीं लावपाची चाल आयल्या.  माल्याक आबोल्यांच्या झेल्यांनी सोबयता कारण जागरयाक ही आबोलेचीं फुलां खूप आवाडटा अशें जाणकारांचें मत आसा.[19]

तशेंच ते पेट्ट्या मेणवातीचें मालें आनी हातांत बडी घेवन तो नाचता. ह्या हातांत आशिल्ल्या बडयेक 'सासण काठी' म्हणटात.  ताच्या आंगार एक धवो शर्ट आनी ताचेर हातकापी झगझगीत कोटी आसता. तशेंचे सकयल लांब घाघरो ताका भितर मानीच्या बेताचो आर्कोटो लायता. तशेंच गळ्यांत भांगराची सरपळी आसता. हो नाच पळोवपाक आमकां शंकर देवाचो तांडव नाच कसो दिसता. ह्या नाचाच्या ओंवयांनी शंकराचो उल्लेख मेळटा. देखीक:

**"भीमादेव महादेवा। जयकडे साधला"[20].**

हो नाच चालू आसतना कोणूच उठून घरा वचना. कारण, गेलो जाल्यार तांका वाटेक आडखळी येतात अशें जाणकार सांगतात.[21] (परिशिश्ट 4 पळोवचें)

ताच्या उपरांत तियात्र सुरु जाता.  तियात्र हो जागराचो भाग न्हय . पूण 1958 वर्सा सावन जागरांत तियात्र एक मनोरंजनाचो भाग म्हूण खेळयतालें. तियात्र गांवचें लोक स्वता बरयतात आनी स्वता काम करतात. भायल्या कंपनीचें तियात्र हाडनात. तांच्या  पयलीं तें पुराय रात ओंवयो म्हणीत पुराय रात जागर करतालें आनी दुसरे दिसा फांतोडेर

सोपयताले. आतां तियात्र सोपल्या उपरांत  पात्र येता तें म्हळ्यार म्हारीण हो मान काब्राल घराण्यांक दिला. पूण हातूंत आतां बदल जाला. हें पात्र दादलेच करतात.  साडी न्हेसून हातांत बेळांचें सूप घेवन येता आनी पेरगांव घालता. ह्या पात्राक संवाद आस्पावता. म्हारणी फाटल्यान 'पावलू भुयार' हें पात्र येता. हो मान परेरा घराण्याक  दिला. तांच्या मदीं संवाद जातात. हातूंत गाळयांचो आस्पव जाता.

ताच्या फाटल्यान येता तें म्हाराचें चली. हो मान रोड्रिगीस घराण्यांक दिला. हें पात्र आपलें संवाद म्हणटा आनी पेरगांव घालता, नाचता आनी वता. हाचे उपरांत सुत्रधार ओंवयो गायता.  समाजांतली वर्ण वेवस्था ह्या जागरांत आमकां दिसता. समाजांतल्या हेर जातीचे लोक जागरांत भाग घेतात हाचें चित्रण आमकां शिवोलेच्या जागरांत दिसता, कारण तें एकवठान रावताले आनी वावुरताले अशें जाणकार म्हणटा.[22]

निमणे कडेन पुरोहीत गाराणें घालता.  देवाकडेन मागता की आमचें कितें चुकलां जाल्यार माफ कर. असोच गांव एकवटान दवर. सगळ्यांची राखण कर. अश्यो जायत्यो मागण्यो ते ह्या वेळार करता. हें सांगणें जाल्या उपरांत म्हारीण गांवान पेरगांव घालता.  त्या वेळार  सुंवारी मांडावल्या परती आदिस्थानार वता. स्वारे वांगडा म्हारीण थारावीक घरांनी वचून आपलो वर्साचो मान मागता. देखीक: सान्नां, खाजें, लाडू, सोरो, आदी. अशें पदार्थ लोक दितात. ही सुंवारी परत आदिस्थानार येता. सुंवारी

मांडार वचपाक आनी मांडार सावन परत आदिस्थानार  येवपाची वाट वेगळी आसा. सुंवारी परतताना ओवयो गायतात. येसायेच्या घुमटे कडेन सुत्रधार परत एक फावट नमन घालता. ह्या वेळार गांवचे लोक हांगां जागरांतलो निमणो नाच करतात. नमना उपरांत हांगां गारणें घालतात. उपरांत म्हारणीच्या सुपांतलें खाणें सगळ्यांक थंय वाट्टा. हें जाता म्हणसर सकाळची 6 वरां जाता.

### 3.5.2 वाद्यां.

जागरांत वाद्यां भोव महत्वाचीं थारता. वाद्यां बगर जागराक उमेद येना. जागरांत वाद्यांचो एक वेगळोच ताल लय आमकां आयकूंक मेळटा. दर एक जागराक आयिल्लो मनीस वाद्यांच्या तालान भुलून वता आनी भितरल्यान उमेदी जावन नाचपाक लागता. जागराची वाद्यां म्हळ्यार घुमट, कासाळें आनी म्हादें. हीं वाद्यां सोडून आनीक खंयच्याच वाद्यांचो वापर ह्या जागरान जायना.

जागरांत आमकां हिंदू क्रिस्तावांचो एकवट पळोवंपाक मेळटा.  तशेंच वाद्यांनी लेगीत आमकां हिंदू क्रिस्तावांचो एकवट दिसता देखीक आमी घुमट हें गोंयच्या मातयेपासून तयार केल्लें गोंयचें वाद्य अशें मानतात. त्याच परीन गोंयांत क्रिसतांव भाव सांजावाक घुमट वाजयतात आनी

हिंदू भाव चवथीक घुमट वाजयतात. तर दोनूय धर्माचें वाद्य म्हळ्यार घुमट हें आमकां ह्या जागरान पळोवंपाक मेळटा. तशेंच कासाळें आनी म्हादें आमकां दोनूय धर्मानी वाजयतात तें दिसता. तर फकत जागरांतूच न्हय तर जागरान आस्पावपी दर एके गजालीन आमकां दोन धर्माचो एकवट जाणवता. हांगां धर्म दोन आनी संगीत एक जाल्लें पळोवंक मेळटा.

वाद्यांक एक बरो ताल मेळचो म्हूण वाद्यां वाजोवपाक बसतात. तांच्या मदीं सोण्णाचो उजो घालतात. ह्या उजाच्या धगार वाद्यांक आशिल्ली चामडी गरम करतात. अशें केल्ल्यान वाद्यांचो खणखणीत आवाज येता. तशेंच पावाचें बोण तयार करून उदक लावन तें मोव करतात आनी म्हाद्याच्या चामडेक मदीं लायतात. (परिशिश्ट 4 पळोवचें)

जागराचें नमन घातल्या उपरांतूच वाद्यां वाजोवपाक मेळटा. तशेंच जागर सोपयतना स्वारी आदिस्थानार पावली म्हणटकच थंय नमन घालता त्या नमना उपरांत वाद्यां वाजोवपाक मेळना.

वाद्यां वाजोवपाक सोपेपणीं कोणाक जमना. कारण सुत्रधार ओंवयो गायता त्याच तालार वाद्यांचेर वाजोवप्याचो हात बसपाक जाय नाजाल्यार सुत्रधाराचो ताल चुकपाक शकता. तशेंच नाचपी पात्रां लेगीत चुकतात. हीं वाद्यां दवरपाक लेगीत एक राखीव जागा आसात. तीं

खंखूय व्हरून दवरनात. आदिस्थानार वयर दोरयो बांदून, कांय हुक घाल्यात त्या हुकांक हीं घुमटां आनी म्हादीं  लोबयतात. तर वाद्यांक लेगीत जागरांत भोव म्हत्व आसा.

### 3.5.3 ओंवयो.

**आदी नमन देवा बाबा सर्वेशा हो। आदी नमन देवा बाबा सर्वेशा ॥**

**फुलां पुष्पांच्यारे परिमळा । फुला पुष्पांच्यारे परिमळा ॥**

**माथ्याक नायोठ्यो ऐकेय भरभरया तुज्या माथ्याक नायोठ्यो ऐक्य भरभरया ।**

**पेंगटी निवळ्या आयकय भरभरया तुज्या। पेंगटी निवळ्या आयक्य भरभरया तुज्या॥**

**पायांत पैंजण्यो ऐकेय भरभरया तुज्या पायांत पैंजण्यो ऐकेय भरभरया तुज्या ॥**

**माथ्याक माथोड्यारे ऐकेय भरभरया । तुज्या माथ्याक माथोड्योर ऐकेय भरभरया॥**

**पेंगटीक निवळ्यारे ऐकेय भरभरया। तुज्या पेंगटीक निवळ्यारे ऐकेय भरमरया ।।**

**पायांत पैंजण्यारे एकेय भरभरया तुझ्या पायात पैंजण्या एकेय भरमरया**

**॥**

**होत काँतरदास वाढला रे पुण्या जागराच्या नव्या दिसा।**

**मार्सालान शिमगी झाला। वैरेंच्या वडाळा मासलान शियगी झाला ।**

**कलावंतीगेर बाबरे झाला राजाचे पलाश्री खाला**

**हो तेका नांव आंद्रो रे। हो तेकां नांव पेद्रो ।**

**मौरयालो खेळौन गेलो। मोरयाली खेळोन गेलो**

ही ओंवी जावन आसा भरभरैय्याची . हें पात्र नाचपाचो मान फर्नांडीस घराण्यांक आसा. पूण आयज गांवचें उमेदी भुरगे माचयेर येवन एकठांय नाचतात. ह्या ओंवयांनी आमकां जागरयो ह्या देवाच्या पात्राचें वर्णन केल्लें पळोवंपाक मेळटा. ताचो पुराय भेस हातूंतल्यान कळून येता. सगळ्यांन पयलीं जे नमन आसा तातूंत सर्वेशा म्हळ्यार शंकराक. हो जावन आसा हिंदूंचो देव आनी बाप्पा म्हळ्यार क्रिस्तांवांचो जेजूक नमन करता. हांगां दोनूय धर्मांच्या देवांक पयलो मान दितात हें जाणवता. तशेंच ताकां फुलांचो परमळ आवाडटा आनी आमी देवाक फुलां घालतात हाचें वर्णन केलां. जागरयाच्या माथ्यार मुकूट आसा अशें हातूंत स्पश्ट जाता. खरें म्हळ्यार हें मुकूट जावन आसा जागरयाचें माथ्यार आशिल्लें

मालें. मुखार ओंवी म्हणटा जागरयाच्या पेंगटान म्हळ्यार कमरेक घागरो घातलेलो दिसता. आनी तो नाचतना पुराय भोवतणी फुलोन नाचता. तशेंच ताच्या पायांत पांयजण म्हळ्यार पांयांतली घातिल्लीं मेळटा. असो ह्या ओंवयेचो अर्थ स्पश्ट जाता. (परिशिश्ट 3 पळोवचें)

**माळणीच्यारे मळयाभोवती सुवर्णाचो वेळुरे ।**

**माऽऽऽ फुल फुल्लेरे साठी तीनशी ९२ कोटी पाकाळ्याचेरे ।**

**ते फुल बघावयास येयले ते ।**

**स्वर्गीचे राजकुंवर, परतोनी गेले रे**

**माऽऽऽ माळणीच्या मळयांत एक शेवंतीचो रोपो ।**

**माऽऽऽ माळणीच्या मळयांत एक शेवंतीचो रोपो ।**

**माळणीच्या मळयांत एक जुयेचो रोपो ।**

**माळणीच्या मळयांत एक जुयेचो रोपो ।**

**माळणीच्या मळयांत एक मोगरेचो रोपो ।**

**माळणीच्या मळयांत एक मोगरेचो रोपो ॥**

**माळणीच्या मळयांत एक अबोलीचो रोपो ।**

माळणीच्या मळ्यांत एक अबोलीचो रोपो ॥

माळणीच्या मळ्यांत एक रोजीचो रोपो ।

माळणीच्या मळ्यांत एक रोजीचो रोपो ।

भलागे माळीणी सुवासीणी ।

भलागे माळीणी सुवासीणी ॥

आम्ही माळिणी सखीया दोघी जणी ।

आम्ही माळिणी सखीया दोघी जणी ॥

फात्यापारा सकाळी उठोनी । फात्यापारा सकाळी उठोनी ।

पहिले शिनाल सांताकुरो काठोन। पहिले शिनाल सांताकुरो कठोन ॥

दयाजी दुश्मान डाव्या पाया जोडीती। दयाजी दुश्मन डाव्या पाया जोडीती ॥

भलागे माळणी सुवासीनी। भलागे माळणी सुवासीनी ॥

आमचो मळो तल्लार घुमेर। आमचो मळो तल्लार घुमेर ॥

आमचो मळो सर्वही फुल्लारे । आमचो मळो सर्वही फुल्लारे ॥

जाया-जुयाचो देवाक भार जाऊनी। जाया-जुयाचो देवाक भार जाऊनी ॥

शेवत्यां मोगऱ्यांचो देवाक भार जाऊनी ॥

**शेवत्यां - मोगऱ्यांचो देवाक भार जाऊनी ॥**

**भलागे माळीनी सुवासीनी। भलागे माळीणी सुवासिनी ॥**

ही ओंवी माळणी आनी माळी नाचतात तेन्ना गायतात. हो मान शिरोडकार घराण्यांक फावो जाल्लो आसा. हे ओंवयेंत माळी आनी माळणी आपल्या मळ्यांत वेग वेगळी फुलां फुलयतात तीं म्हळ्यार जुयेचो रोपो, मोगरेचो रोपो, आबोलेचो रोपो,रोजीचो रोपो आनी हीं फुलां फुलतात म्हूण तांका खूप खोस जाता. त्या वेळार पाच झेले तांचे घोव म्हळ्यार माळी गुंथतात आनी  पयलो झेलो जेजूचे भेटेक धाडटा, दुसरो झेलो सायबाचे भेटेक धाडटा, तिसरो झेलो भिष्माचे भेटेक धाडटा, चवथो झेलो राजाचे भेटेक धाडटा आनी पाचवो झेलो सभेक धाडटा.

## 3.6 जागराचें वेगळेंपण.

सगळ्यांत पयलीं संस्कृतीक मळार हो शिवोलेचो जागर खूब फामाद आसा. फक्त गोंयांतूच न्हय तर पुराय संवसारांत हिंदू क्रिस्तांवांचो जागर आनीक खंयच पळोवंपाक मेळना. तशेंच दोन धर्मा  भितर कसलींच झगडीं वा वाद विवाद जाय नासतना हो जागर शिवोलकार भाव एकवटान मनयतात. हें ह्या जागराचें खाशेंलपण आसा.

नमन आसा तें एक वेगळेंच आसा देखीक:

**पयलें नमन देवा बाप्पा**

**दुसरें नमन देव सुता**

**तिसरें नमन इस्पिरिसांता**

**सर्वय देव एकूंच रे**

**आ...आ...आ..**

**आधिनमन देवा बाप्पा सरवेशां शा.. आआ..आआ** [23]

पयलें जें नमन आसा तें जेजूच्या बापायक दुसरें नमन देव सुता म्हळ्यार देवाचो पूत जो जेजू, तिसरें नमन इस्पिरिसांता म्हळ्यार होली स्पीरिट वा त्रिणीटी आनी सगळें देव एकूच मुखार आधिनमन देवा बाप्पा सरवेशां म्हळ्यार गणपतीचो बापूय सरवेशां. तर हें दोनूय हिंदू आनी क्रिस्तांव धर्माच्या देवांचें नमन जाता आनी मागीर जागराक सुरवात करतात. हांगा दोनूय देवांक मान दितात हो एकवट पळोवंपाक मेळटा.

जागराची सुरवात करच्या पयलीं दोन मुखेल गजाली घडटाना आमकां जाणवतात. त्यो म्हळ्यार जागराचीं येसाय आनी फोवांची परब. फोवांचे परबेक देवाचो भार हिंदू घराण्याचेर येता म्हळ्यार, देव खाजनयो जागराचो शब्द दिता. आनी हो शब्द घेवपाचो मान क्रिसतांव घराण्यांक आसा. म्हळ्यार नाल घेवप. अशें एक खाशेलपण दिसता. मांडार काकाडे पेटोवन दवरिल्ले आमकां आयज लेगीत दिश्टी पडटात. काकाडे पेटोवपाची जी आदली पद्धत आशिल्ली तीच पद्धत आयज लेगीत वापरतात.

काकाडे, केळमो कापून ताच्या वयर नाल्लाचे वळें दवरून तातूंत तेल घालून उजो पेटयतात. हाचे फाटलें कारण म्हणल्यार ओलो केळमो, ओल्या नाल्लाच्या वळ्याक सकाळ मेरेन पेटपाक थंडसाण दिता आनी हें वळें सकाळ मेरेन पेट्टा.

तशेंच गोंयच्या  खंयच्याच जागरानी आमकां 'जागरयो' हें देवाचें पात्र पळोवंपाक मेळना. गांवच्या लोकांनी तांच्या भाटां भेसांक , शेतां वांयगणाक, गोरवां वासरांक, रोगपिडा हांची राखण करची म्हूण जागर करताले आनी त्या वाठाराचो देव म्हूण तांच्यानी जागर+ ईश्वर  अशें म्हणलें आनी जागरेश्र्वर आसो हो ह्या गांवचो थळावो देव अशें तांच्यानी मानलें.  हो देव मोनो आसा. ह्या देवाची मुर्त बी अशी कांय ना. पूण जागराची एक घुमटी आसा. हे घुमटेंत दिवो पेट्टा आनी एक नाल आसा. हाकाच लोक जागरयो म्हूण देव मानतात कारण ह्या देवाचेर पूराय लोकांचो भावार्थ आसा. तांची मागणी ह्या देवाकडेन येवन पुराय जातात म्हूण लोक देवाक तेल आनी मेणवाती लायतात.  ह्या खातीर जागरांत जागर अशें कोणेंय विचारल्यार सांगचें पडटा शिवोलेचो जागर.

## संदर्भ


1. कन्हैया शिरोडकार हांची 18 डिसेंबर 2023 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत .
2. शांबा शिरोडकार हांची 17 फेब्रुवारी 2024 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत .
3. कन्हैया शिरोडकार हांची 18 डिसेंबर 2023 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत .
4. कन्हैया शिरोडकार हांची 18 डिसेंबर 2023 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत .
5. कन्हैया शिरोडकार हांची 18 डिसेंबर 2023 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत .
6. शांबा शिरोडकार हांची 17 फेब्रुवारी 2024 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत .
7. विनय मडगांवकर हांची 16 डिसेंबर ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत .
8. नारायण तोरस्कार हांची 9 फेब्रुवारी 2024 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत.
9. नारायण तोरस्कार हांची 9 फेब्रुवारी 2024 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत.

10. नारायण तोरस्कार हांची 9 फेब्रुवारी 2024 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत.

11. नाईक, महादेव शांबा. 'शिवोली', महादेव शांबा नाईक, गुडें शिवोलो, बारदेस गोवा. 2013.

12. कन्हैया शिरोडकार हांची 18 डिसेंबर 2023 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत .

13. नाईक, महादेव शांबा. 'शिवोली', महादेव शांबा नाईक, गुडें शिवोलो, बारदेस गोवा. 2013.

14. कन्हैया शिरोडकार हांची 18 डिसेंबर 2023 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत .

15. नाईक, महादेव शांबा. 'शिवोली', महादेव शांबा नाईक, गुडें शिवोलो, बारदेस गोवा. 2013.

16. नाईक, महादेव शांबा. 'शिवोली', महादेव शांबा नाईक, गुडें शिवोलो, बारदेस गोवा. 2013.

17. नाईक, महादेव शांबा. 'शिवोली', महादेव शांबा नाईक, गुडें शिवोलो, बारदेस गोवा. 2013.

18. कन्हैया शिरोडकार हांची 18 डिसेंबर 2023 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत .

19. कन्हैया शिरोडकार हांची 18 डिसेंबर 2023 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत .

20. नाईक, महादेव शांबा. 'शिवोली', महादेव शांबा नाईक, गुडें शिवोलो, बारदेस गोवा. 2013.

21. नारायण तोरस्कार हांची 9 फेब्रुवारी 2024 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत.

22. कन्हैया शिरोडकार हांची 18 डिसेंबर 2023 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत .

23. नाईक, महादेव शांबा. 'शिवोली', महादेव शांबा नाईक, गुडें शिवोलो, बारदेस गोवा. 2013.

# प्रकरण-चवथें

## 4. शिवोलेच्या जागरांत दिसपी धर्मीक एकचार.

गोंयांत खूप कडेन जागर जातात आनी त्या जागरांनी आमकां दोन धर्माचे लोक एकठांय येल्ले पळोवंपाक मेळना. पूण शिवोले गांवांत जावपी जागरांत आमकां हिंदू क्रिस्तावांचो एकवट पळोवंपाक मेळटा.

### 4.1 हिंदू आनी क्रिस्तांव समाजाचो एकवठ.

जागराची पूर्व तयारी ते शेवट मेरेन दोनूय धर्माचे लोक एकठांय येवन हो जागर मनयतात. पूर्व तयारेक म्हळ्यार फोवांचे परबेक रातच्या वेळार खाजनयो हो हिंदू देव भारार जागराच्या येसायेचो नाल्ल गांवच्या क्रिस्तांव दादल्याच्या हातांत दिता. असो हो जागराच्या सुरवातेक दोन धर्माचो एकचार आमकां पळोवंपाक मेळटा.

#### 4.1.1 फोवांचे परबेंत दिसपी समाजीक एकचार.

फोवांची परब जाल्या उपरांत येवपी शुक्रारा रातच्या सुमार 10 वरांचेर येसायेचो आदिस्थानार नाल दवरून जागराच्या येसायेक सुरवात जाता. हांगां पांच नाल्ल परंपरेन चलत आयिल्ल्या मानाच्या घराण्यांतल्यान हाडटात. ते मानाचें घराणें म्हळ्यार एक नाल्ल शिरोडकार हाडटा, दुसरो

नाल्ल फर्नांडीस 1 हाडटा, तिसरो नाल डिसोझा हाडटा. चवथो नाल फर्नांडीस 2 हाडटा. आनी पांचवो नाल परबेक देवान दिल्लो तो. तर हे नाल्ल फक्त हिंदू वा क्रिस्तांव न्हय तर दोनूय धर्माचें लोक हाडटात आनी एकठांय येवन ह्या येसायेक सांगणें करतना ह्या वाटेर दोनूय धर्मातले लोक उपस्थित आसतात. जगरयाक हिंदू लोक तेल दितात आनी क्रिस्तांव लोक मेणवाती दितात. तशेंच जागराची पात्रां आमकां दोनूय धर्मानी वाटूंत घातिल्लीं पळोवंपाक मेळटा.[1]

## 4.1.2 जागराचे तयारेंत दिसपी एकचार.

जागराक सुमार हजार वर्साचो इतिहास आशिल्ल्याचें जाणवता. त्या वेळार जागर सादर करतना मांड सिमेंटाचो वा फातराचो नासलो, तशेंच लायट नाशिल्ली. ते वेळार लाकडाच्या फोळयांनी मांड तयार करताले आनी उजवाडा खातीर केळम्याच्यो मेडी करून ते पत्र्याच्या लातांनी (खाली तेलाच्या डब्यांनी) पुरून तातूंत वयर कापसाच्यो वाती घालून मांडाच्या चारूय वटेन उजवाडा खातीर पेटयताले. म्हेडी पेटोवपाचो मान डिसोझा घराण्याक दिल्लो आसा. हें आयज लेगीत तशेंच पळोवंपाक मेळटा.[2]

### 4.1.3 जागराच्या पात्रांनी दिसपी एकचार.

जागरयाचें पात्र पळयत जाल्यार ताच्या माथ्यार मानीच्या बेळांपासून तयार केल्लें मालें आसता. ह्या माल्याक झगझगीत कागदां वा फोली लावन सजयतात. तशेंच जागरयाची आवडीचीं फुलां म्हळ्यार आबोली. ह्या जागरयाच्या माल्याक आबोल्यांनी सजयतात आनी सरभोंवतणीं मेणवाती पेटयतात. माल्याक मेणवाती पेटोवपाचो मान फर्नांडीस हांका दिला. तांच्यानी ह्यो माल्याच्यो मेणवाती पेटोवंपाक जाय.[3] (अदीक म्हायते खातीर परिशिश्ट 4 पळोवचें)

### 4.1.4 जागराची स्वारी परत येतना दिसपी एकचार.

जेन्ना जागर मांडार नाचून जालो म्हणटकच स्वारी मांडावयल्यान आदिस्थानार येताना वाटेर जागराच्यो ओंवयो म्हणपी शिरोडकरांगेर तांच्या दारांत रावन गांवचे क्रिस्तांव लोक तेर्स करतातले आनी उपरांत आदिस्थानाकडेन वताले. हातूंत हिंदू क्रिस्तावांचो एकवट पळोवंपाक मेळटा . पूण हें दृश्य आमकां आयज पळोवंपाक मेळना.[4]

तशेंच जागर सोपले उपरांत म्हारीण गांवच्या कांय थारावीक घरांनी वचून पेरगांव घालता. त्या वेळार म्हारणीच्या सुपांत सान्ना, खाजें, लाडू अशें खाद्य पदार्थ घालतात. ही म्हारीण हिंदू तशेंच क्रिस्तांव घरांनी भोंवता.

तिणें एकठांय केल्लीं खाणां आदिस्थानार व्हरून स्वारी दवरल्या उपरांत खातात.[5] हीं खाणां खाताना ती हिंदू घरांतली कांय क्रिस्तांव घरांतली हें पळयनात. सगळे एकठांय येवन खातात.

गांवांत आसपी  क्रिस्तांव भावांच्या कोपेलांक लेगीत मान दितात. स्वारी आदिस्थानारच्यान मांडार वतना कोपेलाच्या दारांत रावतात आनी ओंवयो गावन वाद्यां वाजयतात.  जागरा पयलीं जागराचो मांड नितळ- निवळ करतात त्या वेळार गांवचे दोनूय हिंदू तशेंच क्रिसतांव भाव एकठांय येवन काम करतात.

तशेंच जागरा दिसा पुराय दीस रात जाय मेरेन मांडार लाऊडस्पिकर लायतात. ताचेर खंयच्याच देवाचें गीत वा प्रार्थना लायनात. फक्त जिणेक देख दिवपी अशी कोंकणी कांतारां ह्या वेळार वाजयतात.

## 4.1.5 हिंदू क्रिस्तावांच्या विचारांत दिसपी समाजीक  एकचार.

शिवोले गांवचो जागर डिसेंबराच्या निमण्यां सोमाराक जाता आनी आदले दीस आयतारा शिवोलेच्या गिये सायबिणीचें फेस्त मनयतात.  पूण त्या सोमारा जर गांवची देवी सांतेरीची जात्रा आयली तर जागर मंगळारा करतात. कारण गांवचे देवीक पयलो मान दितात.  हातूंत आमकां हिंदू

भाव आपल्या देवीक मान दिवन उपरांत  जागर करतात आनी क्रिस्तांव भाव आपल्या गिये सायबिणीक मान दिवन फेस्त जागरा पयलीं करतात.

हांगां आमकां खंयच्याच धर्मा मदीं आपल्या देवाक केल्लो भेदभाव पळोंवपाक मेळना.  दोनूय धर्माचे लोक एक मेकांक समजून घेवन एकठांय येवन जागर मनयतात.

## 4.2 गांवच्या कोपेलांक दिल्लो मान.

शिवोलेच्या दांडा ह्या वाड्यार आमकां दोन कोपेलांचो उल्लेख मेळटा. जागरा मांडाच्या उजव्या वाटेन 'सेंट ॲन कोपेल' आनी दाव्या वाटेन 'सेंट कॉसेसांवा' हांचे. कोपेल आनी ह्या दोनूय कोपेलां मदीं जागराचो मांड आसा. (अदिक म्हायते खातीर परिशिश्ट 4 पळोवचें)

जागरा दिसा रातची जेन्ना जागराची स्वारी जागराच्या आदिस्थानाकडल्यान जागराच्या मांडार वता तेन्ना वाटेर तीं दोनूय कोपेलांकडेन रावता. हो तांका दिल्लो एक मान आसून तीं दोनूय कोपेलां देवाची स्वारी व्हरपाच्या वाटेक आसात.

तशेंच पयलीं जेन्ना हिंदूनी बाटाबाटीक लागून जागर करपाचो सोडून दिल्लो तेन्ना गांवच्या नव क्रिस्तांवानी तो सांबाळ्ळो ह्या कारणांक

लागून तांच्या देवाक मान म्हूण स्वारी कोपेलांच्या दारान रावता अशें जाणकार सांगतात.[6]

स्वारीक आसपी लोक दोनूय कोपेलांच्या दारान उक्ताडार वाटकुळे बसतात आनी वाद्यां वाजयतात तशेंच सुत्रदार ओंवयो म्हणटा. हें दृश्य दोनूय कोपेलांकडेन घडटा.

कांय वेळ थंय वाद्या वाजोवन आनी ओंवयो  गावन स्वारी नाचत , वाजत, गायत मुखार येता. जागरा मांडा फुडल्यान दोनूय स्वारी एक जावन वयर मांडार चडटा. आनी उपरांत जागराक सुरवात जाता.  एक स्वारी येवपाक कळाव जालो जाल्यार दुसरी स्वारी तिका सोडून मांडार वयर चडना.

ह्या दोनूय कोपेलांक जागराच्या पयलीं जागरा मांडाक रंग मारतात तेन्ना तांकाय रंगयतात आनी दोनूय कोपेलांक  लायटी  घालतात. हे पयशे क्रिस्तांव लोक वेगळे दिनात. पूण जागरा मांडार जमिल्ल्या पयशांनीच रंग मारता. तशेंच साफ लेगीत करता.

कांय लोक ह्या कोपेलांक जागरा दिसा वाटेर चलतना भितर सरतात आनी पांयां पडटात. फुलांचे हार, तेल, मेणवाती ह्या कोपेलांक दितात.

गांवची दोनूय कोपेल क्रिस्तावांचे आसून लेगीत स्वारीक आशिल्ले हिंदू भाव त्या दिसा थंय कोपेलानी वचून बसतात आनी पांयां पडटात. ह्या

कोपेलांक जागराच्या सुरवातेच्यान मान दिल्लो आसा तो आयज लेगीत परंपरेन तसोच चालूच आसा हें कळटा. तशेंच एक कोपेल पुराय नवें बांदलां ते लेगीत जागराच्या पयशांनी. ह्या दोनूय कोपेलांकडेन जेन्ना स्वारी रावता तेन्ना नमन म्हुणून जाल्या उपरांत खास ओंवयो गायतात.

**“सांता कुरसां भागेवंता**

**आमी आयल्या सायबा काकुळवंता**

**तुजी सावळी आमचेर दवर  गा आतां**

**आ....आ....आ”** [7]

अशें तरेन शिवोलेच्या जागरांत फक्त जागराच्या मांडाकूच न्हय तर गांवच्या क्रिस्तावाच्या कोपेलांक लेगीत मान आसात.

## 4.3 ओंवयांनी  धार्मिक एकचारा संदर्भांत जाल्लो उल्लेख.

जागराच्यो ओंवयो हेर गोंयच्या जागरापरस वेगळ्यो आसात. ह्यो लिखीत स्वरूपात आमकां मेळना पूण मौखीक रूपांत एका पिळगे कडल्यान दुसरे पिळगे मेरेन पावल्यात. ह्या जागराच्या ओंवयांनी आमकां मराठी,

पोर्तुगेज आनी कोंकणी भासांतल्यान उतरांचो उल्लेख मेळटा. कांय उतरां अशीं आसात तांचो अर्थ अजून कोणाक कळना. तशेंच जागराच्या ओंवयांनी आमकां हिंदू तशेंच क्रिस्तांव धर्मातल्या देवांची स्तुती केल्ली पळोवंपाक मेळटा.

जागराच्या पात्रांनी आमकां दोनूय धर्माच्या देवांचो उल्लेख जाल्लो दिसता. सुरवतेक जेन्ना भरभरयाचें पात्र येता तेन्ना सुत्रधार गावपाक सुरवात करतना म्हणटा-

**पयलें नमन देवा बाप्पा,**

**दुसरें नामन देव सुता,**

**तिसरें नमन इस्पिरि सांता**

**सवैव देव एकूंच रे**

**आ.....आ.....आ...**

**आधिनमन देवे बाप्पा सरवेशां**

**आ.... आ.... आ...** [8]

पयलें जें नमन आसा तें जेजूच्या बापायक दुसरें नमन देव सुता म्हळ्यार देवाचो पूत जो जेजू, तिसरें नमन इस्पिरिसांता म्हळ्यार  होली स्पीरीट वा त्रिणीटी आनी सगळें देव एकूच. मुखार आधिनमन देवा बाप्पा सरवेशां

म्हळ्यार गणपतीचो बापूय सरवेशां (महादेव). तर हें दोनूय हिंदू आनी क्रिस्तांव  धर्माच्या देवांचें नमन जाता आनी मागीर जागराक सुरवात करतात. हांगां दोनूय देवाक मान दितात. हो एकवट आमकां जागराच्या ओवयांनी पळोवंपाक मेळटा.

पयलीं जेन्ना फक्त हिंदूचोच जागर जातालो तेन्ना ह्या नमनाचो उल्लेख नासलो फक्त हिंदू देवांचेंच नमन जातालें. उपरांत जेन्ना जागर बंद पडचो न्हय म्हूण हिंदू भावांनी क्रिस्तांव भावावांगडा मेळून हिंदू क्रिस्तावांचो जागर करपाक सुरवात केली तेन्ना दोनूय धर्माच्या देवाचें नांव घेवन जागराक सुरवात केली. पयलीं आनी आंताच्या ओंवयांनी जायतो बदल जाला आनी हेर कांय पात्रांच्यो ओंवयो बदल्ल्यात. पूण जागरयो ह्या पात्राच्यो ओंवयो आदीम काळासावन तश्योच आसात अशें जाणकार सांगतात.[9]

मुखार साईद आनी राजा हे पात्र येता. तांच्या नाचाच्या ओंवयांनी आमकां फक्त क्रिस्तांव देवांची तोखणाय केल्ली पळोवंपाक मेळटा. तांच्या ओंवयांच्या भाशेची बोली क्रिस्तांव समाजांतली आसा. उपरांत माळी आनी मावळणी येतात. तांच्या ओंवयांनी क्रिस्तांवांच्यो ओंवयो आयकपाक मेळटा.

**"फात्या पारार सकाळीं उठोनी**

**जाया जुयांचो देवाक भार जाऊनी**

**पयलो झेलो धाड जेझूचे भेटेक**

**दुसरो झेलो धाड सायबाचे भेटेक**

**तिसरो झेलो धाड भिस्माचे भेटेक**

**चवथो झेलो धाड  राजाचे भेटेक**

**पाचवो झेलो धाड राजाचे सभेक"**

तर ह्या  माळी आनी मावळणीच्या ओंवयांनी आमकां क्रिस्तांव समाजांतल्या देवांचो उल्लेख जाल्लो दिसता तरी लेगीत त्यो ओंवयो ह्या हिंदू क्रिस्तांवांच्या जागरांत गायतात. तशेंच म्हाराचें पात्र येता तेन्ना पावलू भुयार पेरगांव घालतना तो म्हाणटा

**"आंतोन पूता धावूंन यो रे**

**पायक तुजा मारलो म्हुरे"**

ह्या ओंवयांनी आमकां 'आंतोन' हें क्रिस्तांव समाजाच्या मनशाच्या नांवाचो उल्लेख मेळटा.

शिवोलेच्या जागरांत ओंवयो जरी क्रिस्तांवाचो आसल्यो जाल्यार लेगीत तांच्या मदीं कसलोच धर्मीक भेदभाव दवरिनासतना जागराच्या सुरवाती ते शेवट मेरेन पुराय ओंवयो शिरोडकार घराणयाचो हिंदू मनीस गायता. हातूंत आमकां ह्या जागराच्या ओंवयांनी लेगीत दोन धर्माचो एकचार आयिल्लो पळोवंक मेळटा.

## 4.4 जागराचें आधिस्थान आनी ताचें म्हत्व.

शिवोलेच्या जागरान आदिस्थानाक भोव म्हत्व दिल्लें आमकां पळोवंपाक मेळटा. जागराच्या पयशानी हीं घुमटी बांदल्या. जागराचें आदिस्थान क्रिस्तांव घराण्याच्या आंगणान आसा. हें गांवच्या फर्नांडीस हाचें घर. हो जागर जेन्ना बामणवाडो हांगा जातालो तेन्ना सावन ह्याच जाग्यार येसाय मारप जाताली आनी बामणवाड्यार जावपी जागराची सुपली दाण्याकारानी चोरून हाडली तरीय ते त्याच जागयार येसाय मारतात. कारण हें जागराचें आदिस्थान आसा.

ह्या जाग्यार जागराच्या मांडार आसा तसलीच जागराची घुमटी थंय आसा. ह्या घुमटेंत खंयच्याच देवाची मुर्त बी कांय ना. त्या घुमटेंत फक्त एक लामण दिवो पेट्टा आनी एक नाल्ल दवरिल्लो आसा. हो दिवो तांका सदांकाळ चालूच दवरचो पडटा. लोक हाकाच 'जागरयो' म्हूण

मानतात. गांवचे लोक अशें मानता की जागरयाचें हें मूळ स्थान आनी तो हांगाच बसलेलो आसता.

जागराच्या सुरवातेक येसाय मारतात तेन्ना जागराक कसलीच आडखळ येवची न्ही म्हूण ह्या आदिस्थानार सगळ्यांत पयलीं येसायेचो नाल घुमटेंत दवरून सांगणें करतात. आयतार, शुक्रार आनी बुधवार अशे तीन दीस ह्या आदिस्थानार रातच्या सुमार 10:00 वरांचेर सगळें गांवचें लोक एकठांय येवन येसाय मारतात.

जर एक पात्र नवें आसा जाल्यार ताका तो नाच कसो नाचचो हें सगळें शिकोवपाचें काम ह्या आदिस्थानार जाता. तशेंच नव्या वाजोवप्यांक वाद्यां कशे तरेन वाजोवप हें लेगीत हांगांच येसायेच्या वेळार शिकयतात.

घुमटेंत आशिल्लो जागरयाचो लामण दिवो फर्नांडीस घराण्यांक सदांकाळ रात दिस पेटोवन दवरचो पडटा. तशेंच घुमटेच्या आशी कुशीची सुवात नितळ निवळ दवरची पडटा. जागरा दिसा स्वारी आदिस्थानार कडल्यान मांडार वता. मांडार वयचे पयलीं आदिस्थानार नमन घालून वाद्यां वाजयतात. उपरांत नाचत गायत एके पारंपारीक स्वारीचे वाटेंतल्यान मांडार वता.

तशेंच मांडार जागर नाचून जाले उपरांत स्वारी गेल्ली तेच वटेन परत वाजत नाचत गायत आदिस्थानार येवन दवरतात. थंय सोंपयतना नमन घालतात आनी स्वारी दवरतात.

## 4.5 जागराच्या सादरीकरणांतल्यान दिसपी धर्मीक एकचार.

शिवोलेचो जागर हो हिंदू क्रिस्तावांचो जागर म्हूण नामना आसात. दोन धर्माचे लोक एकिकडे येवन तांच्या मदीं कसलोच धर्मीक भेदभाव दवरिनासतना एकठांय जागर मनयतात. जागरा दिसा पुराय गांव एक घराबो कसो वावुरता.

सगळ्यांत म्हत्वाची गजाल म्हळ्यार जागराचीं पात्रां. हीं पात्रां हिंदू आनी क्रिस्तांव घराण्यांनी वाटून घातल्यात. स क्रिस्तांव घराणीं आनी एक हिंदू घराणें हातूंत भाग घेतात. हांगा आमकां जागरा दिसा मांडार पात्रांच्या माध्यमांतल्यान सादरीकरणात दोन धर्मएकचार दिसता.

दुसरे वटेन पळयत जाल्यार वाद्यां वाजोवपी फक्त एकाच धर्माचे लोक आसनात. ते दोनूय हिंदू तशेंच क्रिस्तांव भाव मेळून मांडार वाद्यां वाजयतात. तांकां कोणूच वाजोवपा पासून आडायनात. तशेंच जागराच्यो ओंवयो म्हूणपी सुत्रदार शिरोडकार घराण्याचो हिंदू मनीस ओंवयो गायता. तो दोनूय धर्माच्या पात्रांच्यो ओंवयो गायता. हातूंत खंयच तांच्या मदीं फुटाफूट जाल्ली पळोवंपाक मेळना.

जागराची स्वारी जी आदिस्थाना कडल्यान जागराच्या मांडार वता ती लेगीत एकचाराचें प्रतीक अशें म्हणपाक कांयच हरकत ना. कारण ह्या स्वारींत फक्त हिंदू भाव भाग घेतात अशें ना तर दोनूय धर्माचे भाव

हातांत चुडी घेवन वाद्याच्या आनी गायनाच्या तालार उमेदीन जागरा दिसां नाचतात. ह्या सगळ्यां गजालींनी शिवोलेच्या गांवचो एकवट जागरांत जाणवता.

फोवांची परब जाल्या उपरांत येवपी शुक्रारा येसायेक सुरवात जाता. ह्या येसायेक शुक्रारा सुरवात म्हूण गांवचो फर्नांडीस घरांतलो मनीस गांवांत येसायेचे पेरगांव घालीत सुट्टा. तो गांवच्या पुराय हिंदू तशेंच क्रिस्तावांच्या घरांनी सांगता. हांचो येसायेक सुरवातेक जाल्लो मेळ पळोवंपाक मेळटा.[10]

## संदर्भ

1. कन्हैया शिरोडकार हांची 28 मार्च 2024 ह्या दिसां घेतिल्ली मुलाखत.
2. कन्हैया शिरोडकार हांची 28 मार्च 2024 ह्या दिसां घेतिल्ली मुलाखत.
3. कन्हैया शिरोडकार हांची 28 मार्च 2024 ह्या दिसां घेतिल्ली मुलाखत.
4. कन्हैया शिरोडकार हांची 28 मार्च 2024 ह्या दिसां घेतिल्ली मुलाखत.
5. तरूण भारत  ह्या दिसाळ्यांत सोमार तारीख 29 डिसेंबर 1997 ह्या दिसा सुदेश आर्लेकर हांचो प्रकाशीत लेख.
6. कन्हैया शिरोडकार हांची 28 मार्च 2024 ह्या दिसां घेतिल्ली मुलाखत.
7. नाईक, महादेव शांबा. ‘शिवोली’, महादेव शांबा नाईक, गुडें शिवोलो, बारदेस गोवा. 2013.
8. कन्हैया शिरोडकार हांच्यानी दिल्ल्या जागराच्या ओंवयांची हातभरपा.
9. कन्हैया शिरोडकार हांची 28 मार्च 2024 ह्या दिसां घेतिल्ली मुलाखत.

10. तरूण भारत ह्या दिसाळ्यांत सोमार तारीख 29 डिसेंबर 1997 ह्या दिसा सुदेश आर्लेकर हांचो आयिल्लो लेख.

# प्रकरण-पाचवें

## 5. जागरांतले लोकसंस्कृतायेतल्यान दिसपी एकचार.

गोंयांत लोकसंस्कृताय भौशीक जिणेंतल्या दर एका पांवड्यार दिसता. लोकमनीस जिविताच्या दर एका पांवड्याचो ,दर एका वर्गाचो, दर एका वेळाचो आनी सैमाचो लोकसंस्कृतायेन आस्पाव जाल्लो आसा.[1]

शिवोले गांवांत लोक आदिम काळासावन जागर मनयत आयल्यात. शिवोलेच्या जागरांत लोकसंस्कृतायेची खाशेली अशी गजाल पळोवंपाक मेळटा, ती म्हळ्यार गांवचो हिंदू-क्रिस्तावांचो एकचार. गोंयच्या हेर खंयच्याच जागरान हो दोन धर्माचो एकचार आमकां पळोवपाक मेळना.

## 5.1 जागराची परंपरा.

शिवोलेच्या जागराचो इतिहास पळोवंपाक वचत जाल्यार तो सुमार 900-1000 वर्सांचो आसपाक जाय अशें जाणकार सांगतात.[2] तशेंच जागराची परंपरा खूप पोरणी आसा अशें जागर पळयतल्याक कळून येता. ह्या जागराचो सुत्रधार श्री. कन्हैया शिरोडकार फाटलीं सुमार 13 वर्सां जागराच्यो ओंवयो गायता. ताच्या घरांतली ही सातवी पिळगी हें ओंवयो गावपाचें काम करता.

हाचें वयल्यान कळून येता की  जागर सुरू जाल्ल्याक मदीं खंयच बंद वा खंड पडूंक ना.  तो अखंडीत पणान चालूच उरलो. जर जागर बंद केलो वा त्या वर्सा जागर सादर करूंक ना जाल्यार गांवचेर कसलेय वायट संकट वा अरिश्ट येवपाक शकता असो गांवच्या हिंदू तशेंच क्रिस्तांव लोकांचो समज आसा.

आपलीं शेतां भाटांची राखण जावची, लोकांक रोग आनी पिडा पासून पयस दवरचे. गांवचेर आनी कसलेंच अरिश्ट येवचें न्ही म्हूण लोक गांवांत जागर करतात.

### 5.2 जागराच्या आदिस्थानाकडेन जावपी येसाय.

परिसरांत वास्तव करून आसलेले वेगवेगळे देव आनी देवींचे आदिस्थानार येसायेक सुरवात करचे पयलीं स्मरण करप जाता. कसलेंय अरिश्ट वा आडखळ येना आसतना हो जागर बरे तरेन करून घे म्हूण लोक आदिस्थानार पयले येसायेक शुक्रारां जमतात आनी गाराणें घालतात. त्या गाराण्यांत गांवच्या सगळ्या देवांक होरायतात आनी सांगणें करतात. देखीक -

**“श्री देवी आदिमाया आदिशक्ती शिवोलेची भुमीका, माता देवी सातेरी, तशेंच रवळनाथ, शिवनाथ आनी गावडोवंस, तशेंच शिवोलेच्या स्थळार**

**जे राखणदार आसात ते. सडयान साखळ्यो, शेळीन आजोबा,रायन दाडोबा, गुड्यान काळोबा, आनी दांण्यावयलो खाजनेश्वर, येसाय सुरू करतात ती बरे तरेन जावची, त्याचप्रमाण जागराचो उत्सव बरे भशेन, आनंदान आनी कसलीच अडचण येवच्या शिवा जावचो."** अशें मागणें करतात.[3]

अशें पारंपारीक रितीन देवाक उलोव मारून वार्शीक जागराच्या येसायेक फोवांचे परबेक खाजनयान भारार फेर्नांनडीसाच्या हातान दिल्लो नाल दवरून सुरवात जाता.

ह्या कृतीत आजून पासून कसलेंच बदल जाल्ले पळोवंपाक मेळनात. हांगा सांगणें जरी हिंदू लोकांच्या देवांचें आसलें तरी लेगीत हें सांगणें जागराच्या आदिस्थानार म्हळयार फेर्नांनडीसाच्या आंगणांत जाता. हे येसायेक क्रिस्तांव भाव लेगीत वांटेकार जातात.

जागराच्या आदिस्थानाकडेन जावपी येसायेक लोकसंस्कृतायेचेर उजवाड घालतना दिसता. हे येसायेक वाद्यां वापरतात तीं मातयेपासून तयार केल्लीं घुमटां आनी त्या घुमटांक वयर आसपी गारीचें चांबडें. तशेंच दुसरें वाद्य म्हळयार म्हादें वा म्हादाळें जें मातये पासून तयार केल्ले आसता आनी ताका दोनूय वटेन गारीचें चांबडें बांदता. तशेंच तिसरें वाद्य म्हळ्यार कासाळें जें धातू पासून तयार करतात. हीं तीन पारंपारीक वादयां जागरांत वाजयतात. घुमट आनी कासाळें हें हिंदू भाव चवथीक वाजयतात आनी क्रिस्तांव भाव आपल्या सांजावाक वाजयतात. एकूच

वाद्य दोन धर्मांतले लोक वाजयतात म्हळ्यार लोकसंस्कृतायेतल्यान जाल्लो हो मेळ आमकां म्हणपाचें लक्षांत येता. [4]

आदिस्थानार जावपी जागराचे येसायेन ओंवयो आनी नमनांचो उल्लेख येता. ह्यो जागराच्यो ओंवयो  ह्यो लोकसंस्कृतायेचो भाग जावन मुखार सरता तें दिसता. ह्यो ओंवयो आनी नमनां कोणेंच बरोवन कडूंक ना थळाव्या लोकांनी आपल्या तोंडार परंपरेन येता तं म्हणलें आनी  वर्सांची वर्सां तेंच  परत परत म्हणून ओंवयो  म्हणतात. ह्या ओंवयांनी सामाजांतल्या दिसपट्ट्या जिवितांत लोक कसलें काम वा वेवसाय करतात तांचो उल्लेख जाल्लो आसा. तशेंच गांवच्या चलयांची केल्लीं फकांडां वा हेर लोकांक तिडक हाडपा खातीर चाळोवपी संवाद ह्या ओंवयांनी आस्पावल्ले पळोवंक मेळटा.

जागराच्या आदिस्थानार जावपी निमणें येसायेक 'रंगीत तालीम' अशें म्हणटात.  ह्या येसायेक येसाय सोपल्या उपरांत लोक खाणें हाडटात. तें देवाक दवरून मागीर आदिस्थानाच्या मुखार आशिल्ल्या शेतांचे वाटेर पूर्वजांक हें खाणें कट्टेन दवरतात आनी मागीर हेर जमिल्लांक तें वाट्टात. हीं आदली पद्धत आतां वापरतना दिसना.  अशे तरेन शिवोलच्या जागरांतूच न्हय तर येसायेचया वेळार लेगीत लोकसंस्कृताय जाणवता.

## 5.3 स्वारी आनी कोपेला कडलें थळ.

स्वारी म्हळ्यार परंपरेन चलत आयिल्ली एक मिरवणूक जी जागरा दिसा रातच्या सुमार 10:30 वरांचेर आधिस्थानाकडल्यान वाद्यां वाजयत, ओंवयो म्हणीत नाचत गायत जागराच्या मांडार वतात. त्यो ओंवयो फक्त स्वारी व्हरतना आमकां आयकुपाक मेळटात. देखीक-

**“माथ्याक चेपें इलुताचें**

**आनी अशेंच चलोनी आमच्या भावांचें**

**अम्या तुझो ताळो रे कुणी मोडिलो,**

**दाण्याकारा भुरग्यांनी खेळ मांडीलो**

**शिवोलेचे पालकेक बारा तेरा हालके**

**यश दि गे भुमीके शिवोलेचे”** [5]

स्वारी वताना जाण्टे नेण्टे भुरगे ह्या स्वारीन भाग घेतात आनी गायतात. माथ्याक चेपें इलुताचें आनी अशेंच चलोनी आमच्या भावांचें अशें गायतना तांची उमेद दिसता आनी एकवटाच्या ह्या संदेशान आंगार काटो फुलता. (अदीक म्हायते खातीर परिशिश्ट 4 पळोवचें)

तशेंच आदल्या काळार वाटेक लायटी नाशिल्ल्यान आदिस्थानार साकून जागरा मांडार वता त्या स्वारिचे वाटेर लोकांक काळखान दिसचें म्हूण

चुडटांची चुडी पेटयत नाचत गायत वतात. ही चुडी माडांच्या चुडटांची केल्ली आसता ती घट एकठांय उरपाक लागून काथ्याची सुमली बांदतात. हें दृश्य आयज लेगीत आमकां पळोवंपाक मेळटा. अशे तरेन ह्या गांवच्या लोकांनी लोकसंस्कृताय सांबाळून दवरल्ली आसा.

मुखारूच कोपेल मेळटा, त्या कोपेलाक मान म्हूण ते स्वारी घेवन थंय बसतात आनी वाद्यां वाजयत ओंवयो गायतात. हांगा कांय थारावीक ओंवयो गावपाच्यो आसतात. तशेंच वादयां वाजयतना मदीं सोण्णाचो उजो घालतात आनी त्या वाद्यांक धग दितात. त्या उज्याच्या सरभोंवतणी वाजोवपी बसतात कारण त्या उजाच्या धगान वाद्यांचो आवाज बरो येता. तशेंच बसपाक ते लाकडाची ल्हान स्टूलां घेवन बसतात. ही स्टूलां स्वारी वताना वाटेक पूराय वाट चलत घेवन वतात. आयचें युग आधुनीक तंत्रज्ञानाचें आसा तरी लेगीत गांवांत जागरा वेळार पारंपारीक लोकसंस्कृतायेचो आहार घेवन परंपरा मुखार वयतना दिश्टी पडटा.

## 5.4 जागराच्या दिसा केल्ली खाणां जेवणां.

जागरा दिसा शिवोले हो पूराय गांव एक घराबो कसो दिसतात. त्या दिसा गांवांत आयिल्लो दर एक मनीस गांवचो सोयरो आसता. कोणूय कोणागेर भितर सरल्यार कोणाक कांयच हरकत ना. गांवचो पारंपारीक

खाशेलो असो धंदो म्हळ्यार सूर काडप. लोक माडाचीं सूर काडून विकतात आनी आपलें घर चलयतात. जागरा दिसां खाशेलें अशें खाण म्हळ्यार माडाची सूर घालून केल्ली सान्ना. हीं सान्ना उकड्या तांदळांचीं करतात. तशेंच गोड आनी सय घालून गोडचुनाची करतात. त्या दिसा दर एक आयिल्लो मनीस सान्ना खाल्ले बगर वचना. तशेंच जेन्ना म्हारीण पेरगांव घालीत कांय घरां घरांनी भोंवता तेन्ना तिच्या सुपांत लोक सान्ना घालतात. जागराच्या आदले दिसा म्हळ्यार आयताराक शिवोलेच्या गिये सायबिणीचें फेस्त जाता त्या फेस्ताक लेगीत हिंदू तशेंच क्रिस्तांव भाव सान्ना करतात. त्या दिसा माडाची सूर काडपी लोक काडिलली सूर गांवां भायर विकनात ती सान्ना करपा खातीर राखून दवरतात. (अदीक म्हायते खातीर परिशिश्ट 4 पळोवचें)

जागरा दिसा दर एका घरांत जेवणाचो वास पातळटा. एका फाटल्यान एक अश्यो जेवणाच्यो पंगती चालूच आसता.  हरशीं लोक सोमार हो जागराचो दीस म्हूण शिवराक रावता. पूण तो दीस सोमार आसून लेगीत मुजरत नुस्ते करतात आनी चिकन करतात.  त्या दिसा खाल्ले जाल्यार जागरयो माफ करतलो असो लोकांचो देवाचेर भावार्थ आसा.

तशेंच गांवान आशिल्लो हुडो नांवाचो दर्या गांवच्या रूचीक खुब्यांक आनी कालवांक खूप फामाद आसा.  ह्या दर्यांतले खुबे लोक स्वता वचून

काडटात. कालवां बोचून हाडटात आनी जागरा दिसा तांचे बरें मसाल्याचें वा सुकें करतात. दर्याचें नुस्तें लोक गांवांभायर विकनात. तें आपल्या जागराक येतल्या सोयऱ्यांक राखून दवरतात.

जागराक आयिल्ल्या सोयऱ्यांक फक्त खाणां जेवणाचीच न्हय तर सोऱ्याची लेगीत वेवस्था केल्ली आमकां पळोवंपाक मेळटा. जी कोण येतात आनी सोरो पितात आसत जाल्यार तांचया खातीर पिवपाक सोरो आसता. पूण हो सोरो सगळयांच घरांनी आसताच अशें ना. आतांच्या वर्सा आमकां हो सोरो कमी प्रमाणांत दिल्लो दिसता.

जेवण वाडप हें गांवचो मान अशें समजतात. जागराक म्हयनो भर पयलींच लोक एक मेकांक आपलेगेर येवपाक आमंत्रणां दितात.

तशेंच सगळीं जेवन जालीं कांय उरलेलें जेवण लोक इबाड करनात वा भायर मारिनात. तें आपलेगेर आयिल्ल्या सोयरयांक डब्यांनी भरून घरां व्हरपाक दितात.

जागरा आनी फेस्ताच्या दिसा गांवांत आसपी म्हारां वा खावपाक जेवपाक नाशिल्ले लोक सान्ना एकठांय करपाक भोंवतात. तशेंच कोणागेर दुकरां आशिल्ले लोक उरिललें जेवण एकठांय करुन व्हरतात आनी दुकरांक खावपाक दितात.

जागर नातालांचे सुटयेंत आशिल्ल्यान कोण आपलो आपल्या मामागेर, मावशेगेर आत्यागेर चार-पाच दीस पयलींच येवन रावतात. सगळ्याक खोशयेचें वातावरण पातळटा. जागरा दिसा जाण्टी- नेण्टी, बायलां-भुरगीं नवे कपडे घालून तशेंच भांगरां- शिंगरां घालून येतात.

# संदर्भ


1. https://hi.m.wikipedia.org.
2. कन्हैया शिरोडकार हांची 28 मार्च 2024 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत.
3. तरूण भारत  ह्या दिसाळ्यांत सोमार तारीख 29 डिसेंबर 1997 ह्या दिसा सुदेश आर्लेकर हांचो आयिल्लो लेख.
4. कन्हैया शिरोडकार हांची 28 मार्च 2024 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत.
5. नाईक, महादेव शांबा. 'शिवोली', महादेव शांबा नाईक, गुडें शिवोलो, बारदेस गोवा. 2013.

# प्रकरण-सवें

# 6. समारोप आनी निश्कर्श.

## 6.1 समारोप.

गोंयचो लोकवेद पळयत जाल्यार चोय दिकांनी फांकारला. तातूंत कालो, रणमालें, खेळ, जागर ह्या सारके विधी नाट्य आस्पावतात . लोकवेदांत आशिल्ली संस्कृताय, चाली-रीती, धार्मीक विधी, सजामीक एकचार, ताचो इतिहास हाचें दर्शन जाता. ह्या गोंयच्या लोकवेदांत जागर हें विधी नाट्य खूप पोरणें आसा. आदल्या काळार गोंयांत एका गावांत एका परस चड जागर जाताले पूण जेन्ना पोर्तूगेजांनी गोंयचेर घुरी घातली तेन्ना हे जागर तांच्यानी बंद उडयलें. तरीय लेगीत पूर्वजांनी कांय गोंयचें जागर बंद पडपाक दिले ना. अश्या जागराची एक उत्तम देख म्हळ्यार बार्देस म्हालांतल्या शिवोले ह्या गांवांत जावपी हिंदू क्रिस्तावांचो जागर.

जायत्या लोकांनी ह्या जागराचेर अभ्यास केला. कांय लोक अशें मांडटात की हो जागर मदीं बंद पडिल्लो आनी उपरांत परत सुरवात जालो. पूण शिवोले गांवांत रावपी जाणकारांच्या मतां प्रमाण हो जागर मदीं खंयच बंद पडलो ना. तो अखंडीत पणान चालूच आशिल्लो. हो मुद्दो पटोवन दितना जागराच्यो ओंवयो गावपी शिरोडकार म्हणटा: “आपल्या घराण्यांची सातवी पिळगी जी ह्या जागराच्यो ओंवयो अखंडीत पणान गायतात”.

**शिवोलेच्या जागरांतलो समाजीक एकचार: धर्म आनी लोक संस्कृतायेच्या संदर्भांत** ह्यो म्हज्या प्रबंधिकेचो विशय हाताळटाना पयल्या प्रकरणांत शिवोले गांवचो इतिहास, समाजीक, संस्कृतीक आनी धर्मीक एकचार कसो आसा हाचेर उजवाड घालता. ह्या गांवची उत्पत्ती कशी जाली गांवाक नांव कशें तरेन पडलें हें अभ्यासलां आतां जी सेंट ॲन्थोनीची इर्गज शिवोले गांवांत आसा, थंय पयलीं शिवाचें म्हळ्यार महादेवाचें देऊळ आसलें आनी त्या देवळांत लींग आसलें. ह्या लिंगाक शिव-लिंग अशें म्हणटात. 'शिवली' अनी उपरांत त्या वाठाराक 'शिवोली' अशें नांव आयलें म्हूण जाणकार सांगतात. शिवोले गांवांत म्हापसासाकून येवपाक आमकां दोन वाटो आसात. एक सडयानच्यान आनी एक मार्नां वाटेनच्यान.

शिवोले गांव धार्मीक , समाजीक आनी संस्कृतीक गिरेस्तकायेन भरला. हेर धर्माचें लोक आमकां हांगां मेळटा. देखीक- हिंदू, क्रिस्तांवा, मुसलमान, शीख, बौद्ध. तशेंच तें आपली धर्मीक कृती करपाक आपल्या धर्मीक स्थळांनी वतात म्हळ्यार देवळां, चर्ची, मसजीद आदी. ह्या गांवांत सगळे लोक एकठांय एकवटान रावतात. कोणाचेरूय कसलेय संकट वा अडचण आयली जाल्यार एक मेकांक गरजेक पावतात.

गांवांत परंपरेन चलत आयिल्ली इतिहासीक तशेंच पौराणीक, विनोदी नाटकां जातात. वाड्या वाड्यार पौश म्हयन्यांत गांवची सुहासीनी बायलां

धालो खेळटात. क्रिस्तांव लोक सांजावाची परब मनयतात. तशेंच चवथीच्या वेळार सात दीस गणपती आसता तेन्ना घरा घरांनी चित्रां करतात ही चित्रां पळोवंपाक लोक येतात.

शिवोले गांवांत पोट भरपाचें खूप साधन आसा. लोक आपल्या पारंपारीक वेवसायाकडेन आजून नातें जोडून रावल्यात. शेती वेवसाय आनी नुस्तेंमारी वेवसाय हांगां मुखेलपणान चालू आसा. तशेंच गांव दर्याच्या देगार आशिल्ल्यान उडो ह्या दर्यार कायाकिंग ह्या बोटींचो धंदो सुरू केला. देशी विदेशी लोक ह्या वेवसायाक बरो प्रतिसाद दितात. कांय लोक ह्या दर्यार च्या, आडसरां आनी हेर खाणां विकतात.

विदेशी लोक चड प्रमाणात ह्या गांवांत येवपाक लागिल्ल्यान लोक आतां आपलीं घरां आनी गाडयो भाड्याक दितात. अशें तरेन पारंपारीक आनी आधुनीक वेवसाय ह्या गांवांत पळोवंपाक मेळटात.

शिवोले गांवांत जायत्यो परबो आनी उत्सव आमी मनयतात. क्रिस्तांव जावं हिंदू एकवटान येवन ह्यो परबो मनयतात. देखीक शिवोलेच्या गिये सायबिणीचें फेस्त डिसेंबर म्हयन्यांत नातालाच्या परबे उपरांत येवपी आयतारा मनयतात. तशेंच शिवोलेचो सांजाव हो खूप फामाद आसा. गोंयभर लोक हो सांजाव मनोवपाक येतात. हांगा सांजावा दिस बोटिंच्यो जाल्ल्यो सर्तीनी भाग घेतात. तशेंच शिवोलेचो जागर हो फामाद जागर, लोक मोठ्या संख्येन आनी व्हडा उमेदीन मनयतात. गांवांत खूप जात्रा

जातात देखीक म्हाताराजेश्वराची, सांतेरीची, क्षेत्रपालाची आदी. शिवोलेच्या स्वामी समर्थ मठांत जायत्यो परबो मनयताय. देखीक महाशिवरात्री, राम नवमी, गुरू पौणिमा, नवरात्री, दिवाळी, होळी आदी. तशेंच काळोबाच्या देवळांत गुडी पाढव्या  दिसा होमखंडाचो उत्सव जाता.

दुसरें प्रकरण शिवोलेच्या जागराचो इतिहास आनी सादरीकरण खोलायेन अभ्यासलां. जागराक सुमार 900-1000 वर्सांचो इतिहास आमकां मेळटा. ह्यो मुद्दो पटोवन दितना जाणकार सांगतात जागराच्या ओंवयांनी अशरफी म्हूण एक उतर आयलां आनी हें उतर कदंब राजवट जेन्ना गोंयांत राज्य करताली तेन्ना तांचें नाणें म्हळ्यार चलनाचें नांव. त्या काळार लेगीत जागर जातालो म्हणपाचें कळटा.

शिवोलेचो जागर आतां ज्या मांडार जाता थंय जाय नासलो. तो पयलीं बामण वाडो हांगां जातालो. त्या जाग्यार आता शिवोले गांवची मार्नां पंचायत उबी आसा. एक फावट ते लोक दाण्याकारांक जागर करपाक रावूंक नात. जागराक सुरवात केली हे तिडकीन दाण्याकारांनी जागराचें प्रतिक म्हळ्यार जागराची सुपली चोरून हाडली आनी शिवोले गांवच्या दांडा वाड्यार जागर करपाक सुरवात केली.

कसलेंय विधी नाट्यां करतलें जाल्यार त्या नाट्याक मानकरी आसता. तेच परीन ह्या जागरांत कोणूय पात्र जावन नाचपाक शकनात वा जागराच्यो ओंवयो गावपाक शकनात. हो मान कांय थारावीक घरांनी

दिल्लो आसता. शिवोलच्या जागरान स क्रिस्तांव आनी एक हिंदू घराण्याक हो मान फावो जाला. तें घराणें म्हळ्यार फर्नांडीस 1, फर्नांडीस 2, डिसोझा, काब्राल, पेरेरा, रोड्रिगीस आनी शिरोडकार.

जागराच्यो ओंवयो गावपी आनी माळणीचें पात्र करपाचो मान शिरोडकार, भरभरैय्याचें पात्र नाचपाचो मान फर्नांडीस 1, साईद हें पात्र नाचपाचो मान पेरेरा,राजा हो डिसोझा, माळी हें पात्र फर्नांडिस आनी शिरोडकार ह्या घराण्यांक, म्हारणीचें पात्र काब्राल घराण्यांक, म्हार हें पेरेरा, म्हारणीची चली हो मान रोड्रिगीस घराण्यांक दिला. आनी म्हाराचो चलो जो मेस्त घराण्यांक दिला. अशेंतरेन पात्रां नाचपाचो मान ह्या सात घराण्यांक आसा.

जागर सुरु करचे पयली जागराची पुर्व तयारी करतात. एक म्हळ्यार शिवोले गांवांत जावपी फोवांची परब खाजनयाच्या आदिस्थानार जाता आनी दुसरी म्हळ्यार जागराची येसाय जी जागराच्या आदिस्थानार जाता.

आदल्या काळार हुड्यार आशिल्ल्या शेतांनी पावसाचें उदक भरतालें आनी लोकांची शेतां इबाडटालीं. ती इबाडची न्हय म्हूण लोकांनी खाजनयो देवाक उलो मारलो आनी आपल्या शेतांची राखण करपाक सांगली. तो देव तांची राखण करता म्हूण ताका एक मान दिवचो अशें लोकांक दिसलें आनी आपल्या त्या शेंतांनी पिकिल्ल्या भाताचें फोंव देवाक अर्पण केले.

ह्या परबेक लोक फोव,गोड आनी नाल्ल हाडटात तें सगळें एका मानीचे दाळयेर घालून खोर्यान कालोवन देवाक दितात.

फोवांचे परबेक खाजनयाचो भार हिंदूच मनशाचेर येता आनी त्या भारार तो नाल्ल काडून क्रिस्तांव मनशाच्या हातांत दिता. ह्या नाल्लाक येसायेचो नाल्ल अशें म्हणटा. तो नाल हाडून मागीर जागराच्या आदिस्थानार आशिल्ल्या घुमटेंत दवरता आनी सांगणें करून येसायेक सुरवात करता. ही पयलीं येसाय फोवांची परब जावन येवपी शुक्रारा जाता. उपरांत बुधवार, शुक्रार आनी आयतार अशे तीन दीस जागराची येसाय आदिस्थानार जाता.

जागराच्या आदिस्थानाकडल्यान जागराची स्वारी रातच्या सुमार 10:00 वरांचेर वयता. त्या स्वारीक लोक वादयां वाजयतात. सुत्रधार ओंवयो गायता आनी गांवचे हेर तरणाटे तशेंच जाण्टे उमेदीन नाचतात. सेंट ॲन ह्या कोपेलाकडल्यान एक स्वारी वयता आनी सेंट कोसेसांव ह्या कोपेलाकडल्यान दुसरी स्वारी वयता. आदल्या काळार वाटेक लायटी नाशिल्ल्यान चुडी पेटयत नाचत तें मांडार वताले. ही परंपरा आयज लेगीत चालूच आसा.

जागराच्या सादरीकरणांचें स्वरूप अभ्यासतना तातूंत आसपी पात्रां, वादयां, ओंवयो हांचेर भर पडटा.

जागराचें सगळ्यांत पयलें पात्र येता तें आसा भरभरैय्याचें पात्र. तशेंच तांच्या फाटल्यान येवपी साईद आनी राजा, उपरांत माळी आनी मावळणी येतात.  मुखार जागरयाचें पात्र म्हळ्यार घडघडयो हें पात्र. ताच्या फाटल्यान तियात्र जाता आनी तियात्र सोपून म्हार, म्हारीण, म्हारणीचें चली आनी निमणें म्हारणीचो चलो अशीं पात्रां ह्या जागरांत दिसतात.

जागराची खाशेली आनी पारंपारीक अशी वाद्यां म्हळ्यार घुमट, म्हादें आनी कासाळें. गांवचें उमेदी भुरगे एकठांय येवन हीं वादयां वाजयतात.

जागराच्यो ओंवयो मौखीक रुपांत एका पिळगेकडल्यान दुसरे पिळगे मेरेन पावतात.  ह्यो ओंवयो कोणेच बरोवना. पूण त्या काळार पात्रांच्या तोंडाक जें कितें येतालें तें तांच्यानी म्हटलां. हातूंत आमकां क्रिस्तांव तशेंच हिंदू देवांची स्तुती केल्ली आयकुपाक मेळटा.

ह्यो ओंवयो म्हणपाचो मान शिरोडकर घराण्यांक दिला आनी आतां श्री कन्हैया शिरोडकार ह्यो ओंवयो गावपाचें काम करता.

तिसरें प्रकरणांत जागरांत दिसपी धार्मीक एकचाराचेर भर दिला. शिवोलेचो जागर हो हिंदू क्रिस्तांवाचो जागर म्हूण खूप फामाद आसा.  ह्या जागरांत आमकां  हिंदू तशेंच क्रिस्तांव भाव एकठांय येवन जागर मनयतात तें दिसता. जागराची पूर्व तयारी ते शेवट मेरेन तांचो एकचार दिसता. फोवांचे परबेक हिंदू देवाचेर भार येवन तो नाल क्रिस्तांवाच्या हातांत दिता. जागराच्यो म्हेडी गांवचो फर्नांडीस पेटयता ह्यो मान ताका दिल्लो आसा.

जागराचें मालें न्हेसोवपाचो मान शिरोडकर घराण्यांक दिला आनी शांबा शिरोडकार हें मालें न्हेसयता. तशेंच जागर सोंपल्या उपरांत म्हारीण कांय थारावीक घरांनी वचून पेरगांव घालता त्या वेळार दिल्ली खाणां व्हरून तें आदिस्थानार खातात. हीं दिल्ली खाणां क्रिस्तांवांची कांय हिंदूची हो भेदभाव करिनात.जागरा दिसा गांवच्या दोनूय कोपेलांक मान दितात.

जागराच्या पयशांनी तीं निवळ करता आनी रंगयतात. तशेंच स्वारी जेन्ना मांडार वयता त्या वेळार वाटेक ही कोपेलां आशिल्ल्यान तांच्या दारांत बसून वादयां वाजयत ओंवयों गायतात.

चवथें प्रकरण जागराची परंपरेचेर उजवाड घालता. शिवोलेचो जागर बंद पडूंक ना तो अखंडीत पणान चालूच उरलो हें स्पश्ट करता. जागरा दीस पुराय गांव एक घराणें कशें पळोवंपाक मेळटा. त्या दिसा गांवान कोणूय भितर सरता तो त्या गांवचो सोयरो आसता. ताका मागीर कोण ना कोण अग्रो करून आपल्यागेर जेवणाक व्हरता. त्या दिसा दर एका घरांत जेवणाच्यो पंगती एका फाटल्यान एक अश्यो चालूच आसतात. जागराक गांवची सूर घालून केल्ली सान्ना खावपाक चुकयनात. तशेंच लोक गांवचें नुस्तें, खुबे, कालवां आपल्या सोऱ्यांक लागून राखून दवरतात. जागराच्या नांवान शिवोले गांवांत वेगवेगळ्यो संस्था चलयतात. बायलां, तरणाटे, तशें चल्यांनी आपले खेळ आनी संस्कृतीक पंगड तयार केल्यात.

देखीक तरणाट्या भुरगयांनी 'जागरेश्वर बॉयज' असो फुटबॉलाचो पंगड केला. तशेंच चलयांनी 'जागरेश्रवर फुगडी मंडळ' ही संस्था केल्या. गांवच्या बायलांनी जागराचेच नांव घेवन 'जागरूती सेल्फ हेल्प ग्रुप' तयार केला. मुखार गांवच्या तरणाट्या भुरग्यांनी 'जागरेश्वर घुमट आरती मंडळ' सुरवात केलां. ह्या देवाच्या आर्शिवादान तांका खूप यश फावो जाता. हें सगळें करपा फाटल्यान तांचो जागराचेर आशिल्लो भावर्थ दिसता.

## 6.2 निश्कर्श.

1. गोंयच्या हेर जागरांनी आमकां जागरयो हें पात्र पळोवंपाक मेळना. पूण शिवोले गांवांत जावपी हिंदू क्रिस्तावांच्या जागरांत हे पात्र आमकां आस्पावता.
2. शिवोले गांवांत जागराक सुरवात करचें पयलीं जागराची पुर्व तयारी म्हूण फोवांची परब मनयतात. ह्या परबेक हिंदू देव खाजनयो हाचेर भार येता. त्या भारार तो जागराचो नाल्ल गांवच्या फेर्नाडीसाच्या हातांत दिता.
3. जागराची स्वारी रातच्या सुमार 10:00 वरांचेर आदिस्थाना कडल्यान नाचत, गायत, ओंवयो म्हणीत मांडार वयताl. हें आमकां गोंयांत जावपी हेर जागरांत पळोवंपाक मेळना.
4. जागराचें खाशेलपण म्हळ्यार ह्या शिवोले गांवांत जावपी जागरांत हिंदू क्रिस्तावांचो एकचार दिसता.

5. जागरा दीस खाशेलीं अशीं खाणां करतात. तातूंतलेंच एक म्हळ्यार माडाचीं सूर घालून केल्ली सान्नां.
6. कांय लोक म्हणटात हो जागर मर्दी  बंद पडलो. पूण जाणकारांच्या मतां प्रमाण हो जागर केन्नाच बंद पडलो ना. तो अखंडीत पणान आयज मेरेन चालूच आसा.
7. जागर डिसेंबराच्या  निमण्या सोमाराक येता. जर गांवची ग्राम देवी सांतेरीची जात्रा ह्या सोमारा आयली जाल्यार जागर दुसरे दीसाक करतात.
8. मनोरंजनाचे साधन म्हूण शिवोलेच्या जागराक तियात्र करतात. हेर जागरानी हें पळोवंपाक मेळना.

## आधारावळ

### कोंकणी

1. गोन्सालवीस,मार्कोस, क्रिस्तांवांचो जागोर, पणजी गोंय, गोवा कोंकणी अकोदेमी, 2022.
2. नायक, जयंती. लोकबींब, पणजी गोंय, गोवा कोंकणी अकोदेमी, 1998.
3. वेरेंकर, श्याम. गोंयच्या लोकवेदाचो रुपकार, पणजी गोंय, गोवा कोंकणी 1991.

### मराठी

1. नाईक, महादेव शांबा. 'शिवोली', महादेव शांबा नाईक, गुडें शिवोलो, बारदेस गोवा. 2013.
2. खेडेकार, विनायक. *लोकसरिता*, कापांल पणजी गोंय, गोवा कला अकादेमी,

### इंग्लीश

**1.** D'Cruz, Sebastian. *St. Anthony's church and History of Village of Siolim and Marna*. Panjim: New Age Printers,1994.

**2.** Henn, Alexander. *Hindu catholic Engagement in Goa.*

## नेमाळी

- शब्दशारदा ह्या नेमाळ्यांत 31 डिसेंबर 2018 ह्या दिसा आयिल्लो कमलाकर मनोहर हुम्रस्कर हांचो 'शिवोलिचा जागरोत्सव' हो लेख.
- तरूण भारत ह्या मराठी दिसाळ्यांत 31 डिसेंबर 2018 ह्या दिसा प्रीतेश गारूडी नाईक हांचो 'हिंदू-ख्रिस्ती संगमचा शिवोलीतील जागर' हो लेख.
- सुदेश आर्लेकर हांचो 29 डिसेंबर 1997 ह्या दिसा आयिल्लो लेख

## मुलाखती

1. कन्हैया शिरोडकार हांची 18 डिसेंबर 2023 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत .
2. शांबा शिरोडकार हांची 17 फेब्रुवारी 2024 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत .

3. विनय मडगांवकर हांची 16 डिसेंबर ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत.
4. नारायण तोरस्कार हांची 9 फेब्रुवारी 2024 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत.
5. विठू कृष्णा तोरस्कार (शिवोले) हांची 17 डिसेंबर 2023 ह्या दिसा घेतिल्ली मुलाखत.

## परिशिश्ट -01

1. शब्दशारदा ह्या नेमाळ्यांत 31 डिसेंबर 2018 ह्या दिसा आयिल्लो कमलाकर मनोहर हुम्रस्कर हांचो 'शिवोलिचा जागरोत्सव' हो लेख.

2. तरूण भारत ह्या मराठी दिसाळ्यांत 31 डिसेंबर 2018 ह्या दिसा प्रीतेश गारूडी नाईक हांचो 'हिंदू-ख्रिस्ती संगमचा शिवोलीतील जागर' हो लेख.

3. सुदेश आर्लेकर हांचो 29 डिसेंबर 1997 ह्या दिसा आयिल्लो लेख

## परिशिश्ट- 02

1. https://youtu.be/gOWCVeVLmF4?si=ZVjk7rrreNfVg-nE
2. https://youtu.be/SNIiW4O1tQ4?si=BNb8glKmGSOAlKeh
3. https://youtu.be/rIE2n6YnMqc?si=afw5QakwIvbiOaWJ
4. https://youtu.be/_kzSHJGwMAE?si=836m_S_nGaQwutEd
5. https://youtu.be/C4E1U0Uq7y8?si=w1JiVcFKmyMPAJ3V

## परिशिश्ट-03 - नमन आनी ओवयों

पहिले नमन देव बाप्पा माझे पहिले नमन देव बाप्पा ‖

दुसरे नमन देव सुता । माझे दुसरे नमन देव सुता ।।

तिसरे नमन इस्पीरी संता । माझे तिसरे नमन इस्पीरी संता ‖

सर्वही देव एकच रे आऽऽऽ । सर्वही देव एकच रे आऽऽऽ ||

जय नमन साल्वादोरा। जय नमन साल्वादोरा।

नमन मेरियेच्या कुंवरा । नमन मेरियेच्या कुंवरा ‖

कृपानिधे करुणाकरा । कृपानिधे करुणाकरा ‖

जेझु ख्रिस्ता राया रे आऽऽ। जिझु ख्रिस्ता राया रे आऽऽ||

आर्गा देता तुका सायबिणी । आर्गा तुका साबविणी ।।

देवाचे माये सोरगीणी। देवाचे माये सोरगीणी ‖

आज बड्यांची तूं गे राणी। आज बड्यांची तूं गे राणी ‖

आज बड्या राणी रे आऽऽऽ । आज बड्या राणी रे आऽऽऽ ।।

आंकवार माये ईश्वर झाला। आंकवार माये ईश्वर झाला ‖

देवा स्वर्गीचो बडयो झाला गे माये। देवो स्वर्गीचो बडयो झाला ‖

तुझ्न्या मुखार माये उभा राहिल गे माये। तुझ्न्या मुखार उभा राहिला ‖

सुख आणि संतोष माये सांगू लागला गे। सुख आणि संतोष माये सांगू लागला।।

# ओवयों

- **भरभरैय्या**

आदी नमन देवा बाबा सर्वेशा हो। आदी नमन देवा बाबा सर्वेशा ॥

फुलां पुष्पांच्यारे परिमळा । फुला पुष्पांच्यारे परिमळा ॥

माथ्याक नायोठ्यो ऐकेय भरभरया तुझ्या माथ्याक नायोठ्यो ऐक्य भरभरया ।

पेंगटी निवळ्या आयकय भरभरया तुझ्या। पेंगटी निवळ्या आयक्य भरभरया तुझ्या ॥

पायांत पैंजण्यो ऐकेय भरभरया तुझ्या पायांत पैंजण्यो ऐकेय भरभरया तुझ्या ॥

माथ्याक माथोड्यारे ऐकेय भरभरया । तुझ्या माथ्याक माथोड्योर ऐकेय भरभरया ॥

पेंगटीक निवळ्यारे ऐकेय भरभरया। तुझ्या पेंगटीक निवळ्यारे ऐकेय भरमरया ।।

पायांत पैंजण्यारे एकेय भरभरया तुझ्या पायात पैंजण्या एकेय भरमरया ॥

होत कॉंतरदास वाढला रे पुण्या जागराच्या नव्या दिसा।

मार्सालान शिमगी झाला। वैरेंच्या वडाळा मासलान शियगी झाला ।

कलावंतीगेर बाबरे झाला राजाचे पलाश्री खाला

हो तेका नांव आंद्रो रे। हो तेकां नांव पेद्रो ।

मौरयालो खेळौन गेलो। मोरयाली खेळोन गेलो

- **सईद आनी फिरंगी राजा**

हो येता गा इंत्रु मेस्त येता गा। हो येता गा इंत्रु मस्त येता ॥

सईद : (भाषण) घालुनी उरी आणि डोंगरी साकार लोक आयला माणयेर माणी

घालून बसला.

ओवी : हो रे अनार लोतनाला। हो रे अनार पृथ्वीचा ॥

हो रे अनार लोतनाला। हो रे अनार पृथ्वीचा ।।

सईद : इतीयेन माथ्यासोरी घेतल्या मुरे बोथी आणि इतीयेन आयशीली आणि

पोयशीली गाणी पौना वोडल्या मुरे माती.

ओवी : हो रे अनार लोतनाला। हो रे अनार पृथ्वीची ॥

हो रे अनार लोतनाला। हो रे अनार पृथ्वीची ॥

सईद : कोण कोण या लोकांचो आकांत आणि बॉबाव।

कोण कोण या लोकांचो आकांत आणि दबाव।

येका मोरताला एका साकान आणि उडोयतोलो वोरोन काय सुच्या

कोटार आणि वोयोर काढतोलो इगोरजेच्या मोधल्या सावकाच्या मुखार.

ओवी : हो रे अनार लोतनाला। हो रे अनार पृथ्वीची ॥

सईद : जाणान रे बाबानो आणि जाणान गो बायानों साजे माजो आमीक यतोलो.

त्याच्यालागी जोण उपकार मागा आणि ये "त्या" चेडवाक काजार

कोरां (इतक्यात फिरंगी राजा प्रवेश करतो.)

ओवी : वो फिरंगी येता वयाला वडा दवाज्यानेरे। दो फिरंगी येता वयान वडा

दबाज्यानेरे। सतू सांगता तुका आवयबापायच्यानरे ।

राजा : कोण कोण मुरे वो बानोर। कोण कोण मुरे दो वानोर

सईद : एतेच्या येता मुरे जोर.

राजा : तुयेन अंजली आणि पांजली माल्लाय मुरे पाकट्याचो फोर. तू.

दिवसताय माका जगाची चोर.

सईद : आव जगाचो चोर नोय आव वाटेचो वाटसूर. पुठाचो पूण.

राजा : तूं वाटेचो वाटसूर आणि पुणचो पुण जांसी झाल्यार तू ये गोयरे कोशे

चोलोयशी ?

सईद : तू या सोगल्या लोकांचे खायले आणि दामुन धोरेशी ?

राजा : जायन जायन इरितार आणि कासार घालीन रे तुझे कुडीर दोबरात

आणि तिबरात फार.

सईद : आबागा माझ्या भावा ऐतेका तूं दोबरांत आणि तिबरांत घालच्या आधी

फार, वोचोन बोस्तोलो फोन्नेडेच्या बानार जागोर वो कुमेर म्हण

पोयतोलो आणि एकूच पद म्हणून माझ्या जीवाची खोशी करतोलो.

ओव्या : येस्तोसाचो बस्तीयात । तुमका विनोद करता हांव ॥

हांगा ना जागोर हांगा ना कुमेर। हांगा ना जागोर हांगा ना कुमेर ॥

हो तरी जागर ना रे । हो भुरग्याचो खेळ म्हूरे ।।

जागोर जाला गोरसुल्यागेर । पळोक वचा फोरसुल्यागेर ।

तुमी तरी गाया। गायनाचे रात्री पाया।

तुमी तरी वाजा। माका इल्ली करोनी धजा ।

- **फिरंगी राजाचे वेर्स**

सांता आंतोन भला । फिरंगी कुरुयच्या ॥

तुझ्या लिबरार खेळता । मिनीन जेझू राजा ॥

आयज शिंजोर देव शिंजोर देव..... शिंजोर देव स्मिजेरी कोरदीया ॥

दरया उत्या माजारी । कोसलोय वोयगाय घुवरी ॥

पात्री येता कुवरी । भक्त सांता आंतोन

हाय ओनोद बापा। ओनोद पुत्रा

देवा इस्पीरीता सांता ।।

तुझ्या लिवरार खेळता म्हणून ।
नोसा सीयोरीन घातली दिमी ।
ओचोरयाई करी। भक्त सांता आंतोन ।
हाय स्वामी देव स्वामी देव - स्वामी देव ।
तुझे ठाय आसा ॥

जेरुसलेम शहरान । रक्ताच्यो जाल्यो झोरी ।
वोरेसांव कांतार कोरी । भक्त सांता आंतोन ।
आय शिंजोर देव - शिंजोर देव - शिंजोर देव स्मिजेरी कोरदिया ||
दाईदात सांगलेले सोलोमनान सोपोन पारखीले ।
बाळ हातान खेळताले । मीनीन जेझु राजा ।
हाय स्वामीनी - स्वामीनी आम्हा चातक्याची गे तु राणी ॥

- **माळीणी**

माळणीच्यारे मळ्याभोवती सुवर्णाचो वेळुरे ।
माSSS फुल फुल्लेरे साठी तीनशी ९२ कोटी पाकाळ्याचेरे ।
ते फुल बघावयास येयले ते ।
स्वर्गीचे राजकुंवर, परतोनी गेले रे
माSSS माळणीच्या मळ्यात एक शेवंतीचो रोपो ।

माऽऽऽ माळणीच्या मळ्यात एक शेवंतीचो रोपो ।

माळणीच्या मळ्यात एक जुयेचो रोपो ।

माळणीच्या मळ्यात एक जुयेचो रोपो ।

माळणीच्या मळ्यात एक मोगरेचो रोपो ।

माळणीच्या मळ्यात एक मोगरेचो रोपो ॥

माळणीच्या मळ्यात एक अबोलीचो रोपो ।

माळणीच्या मळ्यात एक अबोलीचो रोपो ॥

माळणीच्या मळ्यात एक रोजीचो रोपो ।

माळणीच्या मळ्यात एक रोजीचो रोपो ।

भलागे माळीणी सुवासीणी ।

भलागे माळीणी सुवासीणी ॥

आम्ही माळिणी सखीया दोघी जणी ।

आम्ही माळिणी सखीया दोघी जणी ॥

फात्यापारा सकाळी उठोनी । फात्यापारा सकाळी उठोनी ।

पहिले शिनाल सांताकुरो काठोन। पहिले शिनाल सांताकुरो कठोन ॥

दयाजी दुश्मान डाव्या पाया जोडीती। दयाजी दुश्मन डाव्या पाया जोडीती ॥

भलागे माळणी सुवासीनी। भलागे माळणी सुवासीनी ॥

आमचो मळो तल्लार घुमेर। आमचो मळो तल्लार घुमेर ॥

आमचो मळो सर्वही फुल्लारे । आमचो मळो सर्वही फुल्लारे ॥

जाया-जुयाचो देवाक भार जाऊनी। जाया-जुयाचो देवाक भार जाऊनी ॥

शेवत्या मोगऱ्यांचो देवाक भार जाऊनी ॥

शेवत्या - मोगऱ्यांचो देवाक भार जाऊनी ॥

भलागे माळीनी सुवासीनी। भलागे माळीणी सुवासिनी ॥

**भाषण:** पाच झेले गुंथिले माझ्या पती गा।

पाच झेले गुंथिले माझ्या पती गा ।।

**पहिला माळी**: फुलागे फुला शेवंती, मोगरे कळे फुल्ल्यार जातात दुवाळे आणि

माळल्यार जातात चोले. अशी माझी फुलां घमघमीत आणि दमदमीत.

असा सुंदर माळी आला रे। असा सुंदर माळी आला रे ॥

पाच झेले गुंथिले माझ्या पती गा। पाच झेले गुंथिले माझ्या पती गा ॥

**दुसरो माळी:** माळी रे माळी आव वोडले गोंयचो माळी. आवेन लायल्या

दोन काळगीणीच्यो ओळी. तेका सोवकोला एक कोलो आणि एक काली.

असा सुंदर माळी आला रे । असा सुंदर माळी आला रे ॥

आनी तामसो बैल मळ्यातलो । वडलो तो माळी तळ्यातलो ॥

पांच झेले गुथिले माझ्या पतीगा। पाच झेले गुंथिले माझ्या पती गा ॥

पयलो झेलो धाड जेझूचे मेटे । पयलो झेलो धाड जेझूचे भेटे ॥

पाच झेले गुंथिले माझ्या पती गा। पाच झेले गुंथिले माझ्या पती गा ॥

दुसरो झेलो धाड सायबाच्या भेटे। दुसरो झेलो धाड सायबाच्या भेटे ॥

पांच झेले गुंथिले माझ्या पती गा ॥ पाच झेले गुंथिले माझ्या पती गा ॥

तिसरो झेलो धाड भिष्माचे भेटे। तिसरो झेलो धाड भिष्माचे भेटे ॥

पांच झेले गुंथिले माझ्या पती गा ॥ पाच झेले गुंथिले माझ्या पती गा ॥

चवथो झेलो धाड, राजाचे भेट। चवथो झेलो धाड, राजाचे भेटे ॥

पांच झेले गुंथिले माझ्या पती गा॥ पाच झेले गुथिले माझ्या पती गा ॥

पांचवा झेलो घाड सभेचे भेटे। पांचवा झेलो घाड समेचे भेटे ॥

पांच झेले गुथिले माझ्या पती गा ॥ पाच झेले गुंधिले माझ्या पती गा ॥

आणि माळी मळो शिंपता तल्लार घुमेर । आणि माळी मळो शिपता..... ॥

माळणी रंगार आयल्यो । खेळोन गेल्लो || माळणी रंगार आयल्ल्यो। खेळोन.. ॥

पांच झेले गुंथिले माझ्या पती गा ॥ पाच झेले गुथिले माझ्या पती गा ॥

- **घडघडया**

घडघड्या रे घडघड्या । पाताळ फोड्या ।

वाचान सल्लेलो पुरुष मारेठी येता त्येका।

मारोग लाऊन दियारे ॥ ३ ॥ मा sss

झिळमिळते रें झिळमिळते। हरवे ते भाजून खाते

वाचा नसलेले पुरुष येता त्याका ।

मारोग लाऊन दियारे ॥ २ ॥ मारोगsss

भीमादेव महादेवा । जयकडे साधला। भीमादेव महादेव ।

जयकडे साधला ॥

भीमबाळारे भीम गोपाळा । आता ॥ भीमबाळारे भीम गोपाळा ॥।

दक्षिण वारा वाहला। दरीया खळवळला || दक्षिण वारा वाहला

दरिया खवदलला ॥

घाटींचानी खेळ । लावीला वेल्हाळा । घाटींचानी खेळ ।

लावीला वेल्हाळा ॥

सुवासिनी बायलों लावील्या नि गोळा ॥

सुवासीनी बायलों लाविल्या नि गोळा ॥

माझा थाटा माटा। खांदि वाहिला साठा ॥ माझा थाटामाटां।

खांदि वाहिला साठा ।

ठेंग राजा खेळें । बारीकसे लाघोळे ॥ ठेंग राजा खेळें । बारीकसे लाघोळे ॥

ठेंगाकु दिवे जळतागे गुरवे । ठेंगाकु दिवे जळतागे गुरवे ॥

समेक नमस्कार करता गे गुरवे। सभेक नमस्कार करता गे गुरवे ॥

ठेंग राजा मातला गे। आड पांव घातला। ठेंग राजा मातला गे।

आड पांव घातला ॥

- **म्हारिण**

ईश्वरा घरची भुया रायारे। ईश्वरा घरची मुया रायारे ॥

समेक जवार करता रे। सभेक जवार करता रे ॥

समेक आहेर करता रे। समेक आहेर करता रे ॥

ईश्वरा घरची भुया रायरे। ईश्वरा घरची भुया राया रे ||

**महारीण:** पेरगांव गे पेरगांव

ये आतेन ते ते मेरेन

कोण भीतर सरात त्यका

सहा महिने प्रीजांव आनी

बारा असुरप्यों कोंदीनी सांव

वो येता गा पावलु भुयार येता गा ।

वो येता गा पावलु भुयार येता गा ॥

पावलू भुयार येता रे। तुम्ही तरी कडेक सरा रे || पावलू मुयार येता रे। तुम्ही कडेक सरा रे ‖

**पावलू भुयार:** पेरगांव रे पेरगांव

ये आर्तेन ते ते मेरेन

कोण भीतर सरात त्याका

सहा महिने प्रीजांव आनी

बारा अनुरप्यों कोंदीनसांव

**म्हारीण:** हांव हांगा आसताना तुरे भाड्या कोण ?

**पावलू भुयार:** हांव गांवचो पार्पती गो गांवचो पार्पती.

हांव हांगा आसताना तु गो रांडग्या कोण ?

**म्हारीण :** : हांव गावची मिराशीन रे हांव गांवची

**ओवी:** हे येता म्हारले धाकटे येता गा। हे येता म्हारले धाकटे येता गा ।।

पावलू भुयार आंतोन पुता धावोन ये रे ।

पायक तुझ्या मारलो मुरें।

**म्हारले धाकटे:** पाय रोटों, पाय रोंटो। पाय पाय रॉटों रोंटों

आलेदिले ढांग दिलो। तुका जुँगा। म्हाका पैडो

आलेदिले ढांग दिलो। तुका डेंगा। म्हाका पॅडो

तिरीमिरी झांवतो। तिरीमिरी झांवतो ।

सांता क्रुसाचे कुरुयोनु । सांता क्रुसाचे कुरुयोनु

निवार आमकां आमच्या देवाक । निवार आमकां आमच्या देवाकं

बापाचे नि पुत्राचे । बापाचे नि पुत्राचे ।

ईश्वरा घरची भुया । रायारे ॥ ईश्वरा घरची भुया। रायारे ॥

सभेक जुवाए करता रे । समेक जुवारं करता रे ॥

फेस्त म्हणून हांव फेस्ताक येयलेलो। (२)

सान्नाचो कुडको माझो वरानाचो भुरको। (२)

वर्सा दिसाचो माझो मान करुचो। (२)

आयज ना झाल्या माझो मान करुचो । (२)

ईश्वरा घरांची भुया रायरो। (२)

सभेक जुंवार करता रे। (२)

पुनर्वसाचो पाऊस लागोनी। (२)

राया प्रभुचे रेडे मरोनी। (२)

म्हातारी ढोकरी गोरवां मरोनी। (२)

सुरये कोयत्याक माझ्या धार येऊनी। (२)

पाटलेक पोंवलेक माझे रगत लागोनी। (२)

हांडा कोंगानी माझो वाडो वाढोनी। (२)

ईश्वरा घरची भुया राया रे । (२)

समेक जुंवार करता रे। सभेक जुंवाए करता रे ॥

अंगण पेटलां गे भूमंडळी । अंगण पेटलां गे भूमंडळी |

मेढी पुरल्यागे चोहोकोनी। मेढी पुरल्यागे चोहोकडे ॥

पहिली मेढी देवा बापा। पाटले मेढी देवा बापा ।।

दुसरी मेढी देव सुता। दुसरी मेढी देव सुता ।

तिसरी मेढी इस्पीरी संता । तिसरी मेढी इस्पीरी संता ॥

चवथी मेढी एक पुता । चवथी मेढी एक पुता ॥

ईश्वरा घरची भुया राया रे। ईश्वरा घरची भुया राया रे ॥

सभेक जुवार करता रे । सभेक जुवार करता रे ॥

म्हारीण : पेरगांव गे पेरगांव

कोणाची भुरगी बाळा

फोंडकुलात पुरोयात आनी

घरा चलोक लागा

हे मेरेन हे आंतेन

हांगल्यान मुतल्यात त्यांची

सकाळी उठोन पेज जेवीनसताना

ईश्वरा घरींची भुया रायारे। ईश्वरा घरींची भुया रायारे ॥

## परिशिश्ट-4

## जागरांतली पात्रां










Shubham Vazarkar
Photography





जागराचे आदिस्थान



सवारी मांडार वताना



जागराच्या आदिस्थानार जावपी येसाय



**सेंट ॲन कोपोल**



**सेंट कोसेसांव कोपेल**



**खाजनयाचे आदिस्थान**



**जागरयाचे मालें न्हेसयतना**



जागराची स्वारी वताना



सान्ना करतना

## जागरांतली वाद्यां









**जागराचो मांड**



**सेंट ॲन्थोनी**